| English | Konkani |
|---|---|
| Atmanirbhar Bharat | आत्मनिर्भर भारत |
| Guidelines for Implementation of PM Formalization of Micro Food Processing Enterprise Scheme (PMFME Scheme) | प्रधानमंत्री सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया ऍण्टरप्रायज उन्नयन येवजणेची अंमलबजावणी करपा खातीर मार्गदर्शक तत्वां (प्रधानमंत्री ऍफऍमई येवजण) |
| Registration | नोंदणी |
| Handholding Support | हॅण्डहोल्डींग सपोर्ट |
| DPR and FUPs | डीपीआर आनी ऍफयूपी |
| Application for the Subsidy | अनुदाना खातीर अर्ज |
| Banking Linkages | बँकींग लिंकेजीस |
| Technological Upgradation | तंत्रीक विस्तार |
| Support to FPOs/SHGs/ Cooperatives | ऍफपीओ/आप मजत गट/ सहकाऱ्यां खातीर सहायता |
| Common Facilities | सामान्य सुविधा |
| Branding & Marketing | ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी |
| Vocal for Local | वोकल फॉर लोकल |
| Ministry of Food Processing Industries Government of India | अन्न प्रक्रिया उद्येग मंत्रालय<br>भारत सरकार |
| Panchsheel Bhawan, August Kranti Marg, New Delhi-110049<br>Website: www.mofpi.nic.in | पंचशील भवन, ऑगस्ट क्रांती मार्ग, नवी दिल्ली-110049<br>संकेतथळ: www.mofpi.nic.in |

| Table of Contents | विशय तकटो | |
|---|---|---|
| 1.0 Background | 1.0 फांटभूय | 6 |
| 2.0 One District One Product | 2.0 एक जिल्लो एक उत्पाद | 8 |
| 3.0 Programme Contents | 3.0 कार्यावळीची वळेरी | 9 |
| 4.0 Individual Category | 4.0 वैयक्तीक वर्गवारी | 10 |
| 5.0 Group Category | 5.0 गट वर्गवारी | 12 |
| 6.0 Support for Common Infrastructure | 6.0 सामान्य साधनसुविधे खातीर सहायता | 15 |
| 7.0 Branding and Marketing Support | 7.0 ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी सहायता | 16 |
| 8.0 Capacity Building & Research | 8.0 क्षमता निर्माण आनी संशोधन | 18 |
| 9.0 Institutional Architecture | 9.0 संस्थात्मक रचना | 23 |
| 10.0 Studies & Reports | 10.0 अभ्यास आनी अहवाल | 37 |
| 11.0 Project Implementation Plan (PIP) | 11.0 प्रकल्प अंमलबजावणी नियोजन (पीआयपी) | 38 |
| 12.0 Disbursement of Funds | 12.0 निधीचें वितरण | 40 |
| 13.0 Procedure with Banks for Grant | 13.0 अनुदाना खातीर बँके कडेन प्रक्रिया | 00 |
| 14.0 MIS | 14.0 एॅमआयएॅस | 43 |
| 15.0 Empanelment of Export Institutions | 15.0 निर्यात संस्थांची वळेरी | 45 |
| 16.0 Convergence Framework | 16.0 अभिसरण संरचना | 45 |

| Abbreviations and Acronyms | लघुरूपां आनी परिवर्णी उतरां |
|---|---|
| DPR | डीपीआर |
| Detailed Project Report | सविस्तर प्रकल्प अहवाल |
| DLC | डीऍलसी |
| District level Committee | जिल्लो स्तरीय समिती |
| FPI | ऍफपीआय |
| Food Processing Industry | अन्न प्रक्रिया उद्योग |
| FPO | ऍफपीओ |
| Farmer Producer Organization | शेतकरी उत्पादक संस्था |
| FUP | ऍफयुपी |
| Firm Level Upgradation Plan | फर्म स्तरीय अपग्रेडेशन येवजण |
| GOI | जीओआय |
| Government of India | भारत सरकार |
| Formalization of Micro Enterprises | सूक्ष्म उद्देगाचें उपचारीकरण |
| IA | आयए |
| Implementing Agency | अंमलबजावणी एजन्सी |
| IMEC | आयऍमईसी |
| Inter Ministerial Empowered Committee | आंतर मंत्रालयीन सक्षम समिती |
| IIFPT | आयआयऍफपीटी |
| Indian Institute of Food Processing Technology | भारतीय अन्न प्रक्रिया तंत्रज्ञान संस्था |
| MIS | ऍमआयऍस |
| Management Information System | वेवस्थापन माहिती प्रणाली |
| MOFPI | ऍमओऍफपीआय |
| Ministry of Food Processing Industries | अन्न प्रक्रिया उद्योग मंत्रालय |
| MoU | ऍमओयु |
| Memorandum of Understanding | सामंजस्य करार |
| MSDE | ऍमऍसडीई |
| Ministry of Skill Development and Entrepreneurship | कौशल्य विकास आनी उद्येजकता मंत्रालय |
| MSME | ऍमऍसऍमई |
| Micro, Small and Medium Enterprise | सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम ऍण्टरप्रायज |
| NABARD | नाबार्ड |

| | |
|---|---|
| National Bank for Agriculture and Rural Development | कृषी आनी ग्रामीण विकासा खातीर राष्ट्रीय बँक |
| NCDC | ऍनसीडीसी |
| National Co-operative Development Corporation | राष्ट्रीय सहकार विकास महामंडळ |
| NIFTEM | ऍनआयऍफटीईऍम |
| National Institute for Food Technology, Entrepreneurship and Management | राष्ट्रीय अन्न तंत्रज्ञान, उद्येजकता आनी वेवस्थापन संस्था |
| NGO | ऍनजीओ |
| Non-Government Organizations | बिगर-सरकारी संस्था |
| NRLM | ऍनआरऍलऍम |
| National Rural Livelihood Mission | राष्ट्रीय ग्रामीण उपजिविका मिशन |
| ODOP | ओडीओपी |
| One District One Product | एक जिल्लो एक उत्पाद |
| PEC | पीईसी |
| Project Executive Committee | प्रकल्प कार्यकारी समिती |
| PIP | पीआयपी |
| Project Implementation Plan | प्रकल्प अंमलबजावणी येवजण |
| PMU | पीऍमयू |
| Project Management Unit | प्रकल्प वेवस्थापन युनीट |
| PMKSY | पीऍमकेऍसव्हाय |
| Pradhan Mantri Kishan Sampada Yojana | प्रधानमंत्री किसान संपदा योजना |
| R&D | आर आनी डी |
| Research and Development | संशोधन आनी विकास |
| RP | आरपी |
| Resource Person | संसाधन व्यक्ती |
| SC | ऍससी |
| Schedule caste | अनुसुचीत जात |
| ST | ऍसटी |
| Schedule Tribe | अनुसुचीत जमात |
| SHG | ऍसऍचजी |
| Self Help Group | आप मजत गट |
| SIDBI | ऍसआयडीबीआय |
| Small Industries Development | लघु उद्येग विकास |

| | |
|---|---|
| Bank of India | बँक ऑफ इण्डिया |
| SLAC | ऍसऍलऍसी |
| State Level Approval Committee | राज्य स्तरीय मान्यताय समिती |
| SNA | ऍसऍनए |
| State Nodal Agency | राज्य नोडल एजन्सी |
| SRLM | ऍसआरऍलऍम |
| State Rural Livelihood Mission | राज्य ग्रामीण जिवनोन्नती अभियान |
| TOR | टीओआर |
| Terms of Reference | संदर्भ अटी |
| UT | यूटी |
| Union Territory | संघ प्रदेश |

# 1.0 फाटभूंय

## 1.1 नियाळ

1.1.1 देशांतल्या असंघटीत अन्न प्रक्रिया क्षेत्रांत सुमार 25 लाख अन्न प्रक्रिया उद्देग आसात जे नोंदणीकृत ना आनी अनुपचारीक आसात. फकत 7% प्लाण्ट आनी मशीनरींत भांडवल आनी 3% बाकी उदारी वांगडा असंघठीत अन्न प्रक्रिया क्षेत्र रोजगारांत 74% (जातूंतल्यो एक तृतीयांश बायलो आसात), 12% उत्पादन आनी मूल्यवर्धीत 27% योगदान दिता. हातूंतले सुमार 66% युनीट ग्रामीण क्षेत्रांत आसात आनी सुमार 80% कुटुंब आदारीत उद्देग आसात[1]. हातूंतले चड प्रमाणांतले युनीट प्लाण्ट आनी मशीनरींत आपले एकंदर उत्पादनाच्या रुपान सूक्ष्म उत्पादनांच्या गटांत येतात.

1.1.2 भारतांत असंघटीत अन्न प्रक्रिया उद्देगा मुखार अशीं आव्हानां आसात जी तांच्या विकासाक मर्यादीत करतात आनी कार्यक्षमतेक दुबळी करतात. ह्या आव्हानांत सकयल दिल्ल्या गजालींचो आसपाव आसा: (अ) उत्पादन आनी पॅकेजिंगा खातीर मर्यादीत कुशळताय आनी उत्पादकता आनी नवनिर्मितींचो उणाव; (बी) बरी नितळसाण आनी उत्पादन पद्दती संबंदीत मुलभूत जागृताय नासप हाचे सयत उणी गुणवत्ता आनी अन्न सुरक्षा नियंत्रण प्रणाली; (सी) ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी कुशळतायेचो उणाव आनी पुरवण चैनी वांगडा एकीकरणाची असमर्थताय, आनी हेर; (ड) भांडवलाची कमतरता आनी कमी बँक क्रॅडीट.

1.1.3 असंघटीत सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया युनिटाक कुशळताय प्रशिक्षण, उद्देजिकता, तंत्रगिन्नान, क्रॅडीट आनी बाजारणी, पुराय मुल्य चैनी खातीर निधी सहायतेची गरज आसा, जाका लागून बऱ्या परिणामा खातीर राज्य सरकाराच्या सक्रीय वाट्याची गरज आसा. फाटल्या दसकांत केंद्र सरकारान आनी राज्य सरकारान शेतकाऱ्यांक अन्न प्रक्रिया संस्थाक (FPOs) आनी बायलांच्या आप मजत गटांक (SHG) संघटीत करपा खातीर खूब येत्न केले. आप मजत गटांनी लक्षणीय प्रगती केल्ली आसा आनी ताचे 97% ऍनपीए पातळी सयत भरपाय रिकॉर्ड उत्तम आसात. सरकारान अन्न उत्पादनां सयत उत्पादन आनी सेवा क्षेत्रांतले वेगवेगळे उपक्रम चलोवपाक आप मजत गटांक समर्थ करपाचो येत्न

केल्लो आसा. तशेंच, ऍफपीओ आनी ऍसऍचजींक सहायता दिवपा खातीर आनी तांचे कामकाज वाडोवंक फाटबळ दिवंक कांय सरकारी येवजण्यो आसात.

1.1.4 ही येवजण केंद्र पुरस्कृत येवजण आसा जी सूक्ष्म उद्देगांच्या मुखार येवपी आव्हांनाक तोंड दिवपाक आनी त्या उद्देगांची सुदारणा आनी उपचारीकरण करूंक सहायता दिवपाक गट तशेच सहकारी संस्थांच्या तांकीचो उपेग करूंक तयार केल्ली आसा.

## 1.2 ध्येय

1.2.1 ह्या येवजणीचें ध्येय म्हणल्यारः

i) अन्न प्रक्रिया उद्देगांच्या असंघटीक विभागांतल्या विद्यमान वैयक्तीक सूक्ष्म उद्देगांची स्पर्धात्मकता वाडोवप आनी ह्या क्षेत्राच्या उपचारीकरणेक प्रोत्साहन दिवप; आनी

---

[1]ऍनऍसऍसओ,2015

ii) शेतकारी उत्पादन संघटणा (ऍफपीओ), आप मजत गट (ऍसऍचजी) आनी उत्पादक सहकाऱ्यांक तांची पुराय मुल्य चैनी खातीर सहायता दिवप.

## 1.3 उद्दिश्टां:

1.3.1 सूक्ष्म उद्देग सक्षम करूंक योग्यताय वाडोवंक ह्या येवजणेचीं उद्दिश्टां अशीं आसातः

i. विद्यमान सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देजक, ऍफपीओ, आप मजत गट आनी सहकाऱ्या वरवीं क्रॅडीट पुरवण वाडयल्या;
ii. ब्रॅण्डींग आनी बाजारणीक मजबूत करून संघटीत पुरवण चैनींत एकत्रीकरण
iii. विद्यमान 2,00,000 ऍण्टरप्रायजीस उपचारीक चौकटींत रुपांतर करपाक सहायता;
iv. सामान्य सेवा सुविधा, प्रयोगशाळा, सांठो, पॅकेजींग, बाजारणी आनी उद्धवन सेवां सारकिल्ल्या सेवां मदी प्रवेश वाडोवप;

v. अन्न प्रक्रिया क्षेत्रांतल्यो संस्था, संशोधन आनी प्रशिक्षणांक मजबूत करप; आनी

vi. वेवसायीक आनी तंत्रीक मजती खातीर उद्देगांच्या प्रवेशांत वाड.

## 1.4 खर्च

1.4.1 हे येवजणेंत 2020-21 ते 2024-25 ह्या पांच वर्सांच्या कालावधींत 10,000 कोटी रुपयां मेरेन खर्चाचें नियोजन केलां. हे येवजणे अंतर्गत केंद्रीय आनी राज्य सरकारां मदलें प्रमाण 60:40, उत्तर पूर्व आनी हिमालयी राज्यां मदलें प्रमाण 90:10, विधान परिशदे सयत संघ प्रदेशाचें प्रमाण 60:40 तशेंच हेर संघ प्रदेश क्षेत्रां खातीर केंद्रा वरवीं 100%खर्च करतले.

## 1.5 कव्हरेजः

1.5.1 हे येवजणे अंतर्गत 2,00,000 सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देगांक क्रॅडीट लिंक्ड अनुदाना खातीर थेट मजत करतले. क्षेत्राच्या विकासा खातीर गती दिवपाक पर्याप्त प्रमाणांत सामान्य साधनसुविधा आनी संस्थागत वास्तूची सहायता करतले.

## 2.0 एक जिल्लो एक उत्पाद

2.1 इनपुटाची प्राप्ती, सामान्य सेवां प्राप्त करूंक आनी उत्पादांचे बाजारणीच्या प्रमाणांत लाव घेवपा खातीर ही येवजण एक जिल्लो एक उत्पाद (ODOP) हो दृश्टीकोण आपणायता. हे येवजणे खातीर एक जिल्लो एक उत्पाद मुल्य चैन विकास आनी सहायता साधनसुविधेची आंखणी हेतू चौकट उपलब्ध करतली. एका जिल्ल्यांत एका परस चड ओडीओपी उत्पादांचे समूह आसूंक येता. ओडीओपी उत्पादाच्या क्लस्टराचो विस्तार एका परस चड जिल्ल्यांत आसूंक येता.

2.2 राज्यांत नाशवंत उत्पादांचे येवजणेचेर लक्ष केंद्रीत करून जिल्ल्या खातीर अन्न उत्पादनांचो सोद घेतलीं. राज्य सरकार आदारभूत अध्ययन करतले. ओडीओपी उत्पादन एक नाशवंत कृषी उत्पादन, धान्य आदारीत उत्पादन वा एखाद्या जिल्ल्यांत आनी ते संबंदीत क्षेत्रांत व्हडा प्रमाणांत उत्पादीत केल्लें अन्न उत्पादन आसूंक शकता. आंबो, बटाट, लिची, तमाट, साबुदाणो, किन्नू, भुजिया, पेठा, पापड, लोणचें, जोंदळो आदारीत उत्पादनां, नुस्तें वेवसाय, कुकडांपालन, मांस तशेंच जनावरांचें खाद्य हांचो ह्या दृश्टांतदर्शक सूचींत आसपाव जाता. हाचे अतिरिक्त हे येवजणें अंतर्गत कांय हेर

पारंपारीक आनी नविन्यपूर्ण उत्पादनांक सहायता दिवंक शकतात. देखीक, म्होंव, आदिवासी भागांतलीं कांय लघु रान उत्पादनां, पारंपारीक भारतीय वनस्पतीचें खाद्य पदार्थ जशें हळद, आंवळो, हळदी आनी हेर. इबाडणी योग्य पारख तशेंच सांठो आनी बाजारणी उणी करपाच्या येत्रा सयत तांच्या प्रक्रियेक कृषी उत्पादनांक सहायता मेळटली. हे येवजणें अंतर्गत 'टाकावूतून टिकावू' सयत नविन्यपूर्ण उत्पादनांची पुरवण करपाक लेगीत आदार दितले.

2.3 भांडवलाच्या गुंतवणूकी खातीर विद्यमान वैयक्तीक सूक्ष्म युनिटाक सहायता दिवपाच्या संबंदान ओडीओपी उत्पादन करतल्यांक प्राधान्य दितले. तशेंच, हेर उत्पादन तयार करपी विद्यमान युनिटांक लेगीत सहायता दितले. समुहा वरवीं भांडवलाचे गुंतवणूकीचे बाबतींत, प्रामुख्यान ओडीओपी उत्पादनांत गुंतवणूक केल्ल्यांक सहायता दितले.

2.4 जिल्ल्यांतल्या अश्या हेर उत्पादनांचे प्रक्रिया करपी जे फकत त्या उत्पादनांचेर पयलीं सावन प्रक्रिया करतात आनी जांचे कडेन तंत्रिकी, वित्तीय आनी उद्येजकतायेचें सामर्थ्य आसा अशा समुहांक सहायता दितले.

2.5 नवे युनीट्स, वैयक्तीक वा समुह आसल्यार लेगीत ते फकत ओडीओपी उत्पादनां खातीर समर्थन दितले.

2.6 सामान्य साधनसुविधा आनी बाजारणी आनी ब्रॅण्डिंग फकत ओडीओपी उत्पादनां खातीर सहायता दितली. राज्य वा प्रादेशीक स्तरार बाजारणी आनी ब्रॅण्डिंगा खातीर सहायतेच्या बाबतींत ओडीओपी नाशिल्ल्या जिल्ल्याच्या समान उत्पादनांचो लेगीत आसपाव जातलो.

2.7 वाणिज्य विभाग कृषी निर्यात धोरणा अंतर्गत निर्यातीक सहायता दिवपाक समूह पद्दतीच्या कृषी पिकांचेर लक्ष केंद्रीत करता आनी तुलनात्मक फायदो आशिल्ल्या जिल्ल्यांत कृषी मंत्रालयान विशिश्ट कृषी उत्पादनांच्या विकासा खातीर समूह पद्दतीचेर लक्ष केंद्रीत केलां. कितल्याश्याच राज्यांनी समान क्लस्टर आदारीत विकास स्विकारला. येवजणेच्या ओडीओपी पद्दतीक लागून सामान्य सुविधा आनी हेर सहायता दिवपी सेवा पुरवण करप सोंपें जाता.

## 3.0 कार्यावळीचे घटक

3.1 कार्यावळीच्या क्षेत्राच्यो गरजो पुराय करपी चार व्यापक घटक आसातः

i. सूक्ष्म ऍण्टरप्रायजिसांच्या वैयक्तीक आनी समूह गटांक सहायता;

ii. ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी सहायता;

iii. संस्थांक मजबूत करपा खातीर सहायता;

iv. मजबूत प्रकल्प वेवस्थापन संरचना सुरू करप.

3.2 हातूंतल्या दरेका घटकांच्या तपशिलांचे वर्णन सकयल दिल्ले प्रमाणें आसा.

## 4.0 वैयक्तीक सूक्ष्म ऍण्टरप्रायजिसांक सहायता

4.1 वैयक्तीक सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया युनिट्सांक पात्र प्रकल्प खर्चाच्या 35% मेरेन क्रॅडीट-लिंक्ड भांडवल अनुदान दितले जातूंत दरेका युनिटाची मर्यादा कमीत कमी 10 लाख रुपया मेरेन आसा. बँका कडल्यान रीण मेळयतले जाल्यार लाभार्थ्यांचें योगदान उण्यांत उणे 10% आसूंक जाय.

**4.2 येवजणे अंतर्गत वैयक्तीक सूक्ष्म ऍण्टरप्रायजिसा खातीर पात्रताय निकशः**

i. क्रियाशील आशिल्ले विद्यमान सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया युनीट

ii. विद्यमान युनिट्स जे ऍसऍलयूपीन ओडीओपी उत्पादनां खातीर वळखल्ली आसूंक जाय वा प्रत्यक्ष तपासणीचेर संसाधन व्यक्तीन स्वता जावन वळखल्ली आसूंक जाय. जर विद्युत युनीट वापरल्यार वा युनिटाच्या बाबतींत वीज बील कार्यरत आसल्यार ताका सहायता मेळटली. हेर युनिटा खातीर विद्यमान ऑपरेशन्स, इन्वेंटरी, मशीन आनी विक्री आदार आसतलो.

iii. उद्येगाचो आसपाव करचो न्हय आनी 10 परस कमी कामगारांक कामार दवरचे.

iv. जिल्ल्याच्या ओडीओपीत वळखल्या उत्पादनांत ऍण्टरप्रायज विशेशता सामील आसूंक जाय. हेर सूक्ष्म उद्येगाचो लेगीत विचार करूंक शकतात.

v. उद्येगाचो मालकी हक्क अर्जदाराकडे आसचो;

vi. उद्येगाची स्वताचे मालकीचें/भागिदारी आशिल्ली मालकी स्थिती आसूंक जाय.

vii. अर्जदार 18 वर्सां पिराये परस चड आसूंक जाय आनी शिक्षणीक पात्रताय कमीत कमी 8वी पास आसप गरजेची आसा.

viii. एका कुटुंबातलो फकत एकूच व्यक्ती अर्थीक मजत घेवपाक पात्र थारतलो. “कुटुंब” म्हणल्यार स्वता, जोडिदार आनी भुरग्यांचो आसपाव आसतलो.

ix) प्रकल्प खर्चा खातीर 10% आनी उपचारीकरण करपाची आनी बँक कर्ज घेवपाची इत्सा;

x) प्रकल्पाच्या खर्चांत जागेची किंमत आसपावची न्हय. प्रकल्पाच्या किंमतींत तयार आशिल्ल्या बांधणीची किंमत तशेंच दीर्घ भाडें वा भाड्याच्या वर्कशेडीचो हातूंत आसपाव करूंक शकतात.

प्रकल्पाच्या खर्चांत आसपावीत आशिल्लें वर्कशेडीचें भाडे फकत चडावंत 3 वर्सां खातीर आसूंक जाय.

### 4.3 वैयक्तीक सूक्ष्म युनिट्सां खातीर वेंचणी प्रक्रिया

4.3.1 दुहेरी प्रक्रिये वरवीं सहायता दिवपी विद्यमान युनिट्सांची वळख करतले. एक जिल्लो एक उत्पादनाच्या दृश्टीकोणाच्या आदाराचेर, जिल्ल्यांतली त्या उत्पादनांत गुंतिल्ल्या युनिट्साक शक्य आसल्यार सहायता पुरवण करूंक शकतात. हेर युनीट जे संभाव्य आसात तांका लेगीत सहायता करतले.

4.3.2 हे येवजणें अंतर्गत फायदो घेवंक इत्सूक आशिल्ल्यां कडल्यान, युनिट्सां खातीर चालू तत्वांचेर जिल्लो पातळेचेर अर्ज मागयतले. संसाधन व्यक्ती (आरपी) वेगवेगळया समुहाचें सर्वेक्षण करतले आनी येवजणे अंतर्गत लाव मेळोवपाची क्षमता दाखोवपी युनिट्सांक वेंचून काडटले. थेट प्राप्त जाल्ल्या अर्जां खातीर संसाधन व्यक्ती क्षेत्राचें सत्यापन करतले आनी संभाव्य मुल्यांकन करपा खातीर योग्य ते यत्न करतले.

4.3.3. संसाधन व्यक्तीं वरवीं थेट वेंचून काडील्ल्या युनिटाच्या आदारीत आनी प्राप्त अर्ज सगळीं संभाव्य प्रकरणां जिल्लो स्तरीय समितीक सादर करतले. जिल्लो स्तरीय समितीन दरेका युनिटा खातीर संसाधन व्यक्तीन सादर केल्ल्या अहवालाचो अभ्यास करून इत्सूक व्यक्तींच्यो मुलाखती घेंवच्यो.

4.3.4 संसाधन व्यक्ती वरवीं दरेका युनिटा खातीर घेतिल्ल्या सम्यक तत्परतायेचे तपशील सकयल दिल्ले प्रमाणें आसप गरजेचें आसा:

i) उद्येगाचें वर्सुकी एकंदर उत्पन्न;

ii) उद्येगा वरवीं फारिकणी ट्रॅक रिकॉर्ड;

iii) विद्यमान साधनसुविधा;

iv) फाटलें आनी फुडलें संयोजन;

v) क्लस्टरांत समीपताय;

vi) उद्येगाची बाजारणी संयोजन.

4.3.5 जिल्लो स्तरीय समिती/ राज्य नोडल एजन्सी (SNA) शिफारस केल्ल्या प्रकरणां खातीर संसाधन व्यक्तीन युनिटाच्या श्रेणी सुदारणे खातीर बँक रीण घेवपाची डीपीआर तयार करपाक तांका मजत करूंक जाय. रीण मंजूर करपी आवश्यक दस्तावेजा सयत डीपीआर बँकांक सादर करचे.

**4.4** ओडीओपी आदारभूत अभ्यासान अश्या नव्या भांडवली खातीर आवश्यकतेची / संभाव्यतेची तरतूद केल्ल्यान वयर आंखिल्ली प्रक्रिया नवीन युनिट्सांच्या वेंचणी खातीर लेगीत लागू जातली.

4.5 सरकारांनी डीऍलसी वा ऍसऍनएँ स्तराचेर खंयच्या सूक्ष्म युनिटाच्या सहायते खातीर वळेरी अंतीम करची अशी दिसता ते थारावचें. तेच प्रमाणें, गट, सामान्य साधनसुविधा आनी बाजारणी आनी ब्रॅण्डिंगा वरवीं भांडवल गुंतवणुकी खातीर राज्यान डीऍलसीची / ऍसऍनऍच्या अर्जांची भुमिका थारावची.

## 5.0 गट वर्गवारी

5.1 ही येवजण ऍफपीओ /आप मजत गट / उत्पादक सहकारी अशे समुह आनी गटांक आदार दितली जातूंत वर्गीकरण, ग्रेडींग, पारख करप, सांठो, सामान्य प्रक्रिया, पॅकेजींग, बाजारणी, कृषी उत्पादनांची प्रक्रिया करप आनी चांचणी प्रयोगशाळेचो आसपाव आसा.

## 5.2 शेतकरी उत्पादक संघटणां (ऍफपीओ) / उत्पादक सहकारी

5.2.1 ऍफपीओ आनी उत्पादक सहकार्यांक सकयल दिल्ले प्रमाणें सहकार्य दितले :

i)35% दरेन क्रॅडीट संयोजना सयत अनुदान ,

ii)प्रशिक्षण सहायता;

iii)अशे स्थितींत अनुदानाची चडावंत मर्यादा विहीत केल्ले प्रमाणें आसतली.

5.2.2 **सहकारी / ऍफपीओ खातीर पात्रतायेचे निकशः**

i)हे चड करून ओडीओपी उत्पादनांच्या प्रक्रियेंत गुंतिल्ले आसूंक जाय;

ii)तातूंत कमीत कमी 1 कोटी रुपयांचे एकंदर उत्पन्न आसूंक जाय;

iii)प्रस्तावीत प्रकल्पाची किंमत सद्याच्या एकंदर उत्पन्ना परस चड आसची न्हय;

iv) कमीत कमी 3 वर्सांचो वेव्हार करूंक वांगड्यां कडेन उत्पादनाचें पर्याप्त गिन्यान आनी अणभव आसचो.

v)सहकारी/ऍफपीओ कडेन कामाचो खर्च 10% आनी मार्जीन रक्कम पुर्तता करपा खातीर राज्य सरकारा कडल्यान पर्याप्त अंतर्गत स्त्रोत वा मंजुरी आसची;

**5.3 आप मजत गट (ऍसऍचजी)**

5.3.1 खुबशे आप मजत गट अन्न प्रक्रिया उपक्रम राबयतात. ह्या येवजणेचो आप मजत गटांक सहायता पुरवण करपाचो प्रस्ताव सकयल दिल्ले प्रमाणें आसाः-

**5.3.2 मुदल रक्कम ( seed capital)**:

i) हे येवजणे अंतर्गत आप मजत गटाच्या दरेका वांगड्याक कार्य रक्कम आनी ल्हान उपकरणांच्या खरेदी खातीर 40,000/- रु. मुदल रक्कम पुरवण करतले;

ii)मुदल रक्कम दितना ओडीओपी उत्पादनां मदी गुंतिल्ल्या आप मजत गटांक प्राधान्य दितले;

iii)आप मजत गटांतले सगळे सदस्य अन्न प्रक्रियेंत सामील जावंक शकनात. ते खातीर आप मजत गटांच्या फेडरेशन स्तराचेर मुदल रक्कम दितले;

iv)ऍसऍनए /ऍसआरऍलऍमा कडल्यान आप मजत गटाक फेडरेशनाक अनुदान म्हूण दितले. आप मजत गट फेडरेशन ही रक्कम आप मजत गटांच्या वांगड्यांक आप मजत गटांक परतफेड करपा खातीर रीण म्हूण दितले.

5.3.3 **आप मजत गटांतल्या दरेका वांगड्याक सहायता** म्हूण अन्न प्रक्रिया उद्येगाचो एक युनीट म्हूण 35% क्रॅडीट संबदीत अनुदान चडावंत रक्कम 10 लाख रुपया आसा.

5.3.4 35% क्रॅडीट आप मजत गट पातळी वयल्या फेडरेशनां संबंदीत अनुदाना सयत रक्कम गुंतवणूकी खातीर सहायता दितले. अश्या प्रकरणांत अनुदानाची चडावंत मर्यादा विहीत केल्ले प्रमाणें आसतली.

**5.3.5 आप मजत गटांक प्रशिक्षण आनी निधी सहायताः**आप मजत गटांक सहायता दिवपा खातीर राज्य ग्रामीण उपजिविका मोहीमे सयत (ऍसआरऍलऍम) व्हडा संख्येन प्रशिक्षीत संसाधन व्यक्ती उपलब्ध आसात. ऍसआरऍलऍमच्या ह्या स्थानीक संसाधन व्यक्तींची कृषी उत्पादनांत विशेशतज्ञ आशिल्ल्याचें प्रशिक्षण, युनिट्सांची श्रेणी सुदारणां, डीपीआर तयार करप, निधी सहायता, आनी हेर उपेग करतले.

**5.3.6 आप मजत गटांक मुदल रक्कमे खातीर पात्रता निकशः**

i) फकत सद्याक अन्न प्रक्रियेंत गुंतिल्ले आप मजत गटाचे वांगडीच पात्र थारतले;

ii) आप मजत गटाच्या वांगड्यान ह्या रकमेचो उपेग कार्यरत भांडवला खातीर आनी ल्हान उपकरणांच्या खरेदी खातीर करूंक बांदील आसूंक जाय आनी आप मजत गटाच्या फेडरेशनाक ह्या संदर्भांत वचनबद्दताय दिवंक जाय;

iii) मुदल रक्कम दिवचे पयलीं ऍसऍचजी फेडरेशनान दरेका वांगड्या खातीर सकयल दिल्ले प्रमाणें माहिती एकठाय करूंक जायः

a)प्रक्रिया करपाच्या उत्पादाचो तपशील;

b) हातांत घेतिल्ले हेर उपक्रम;

c) वर्सुकी उलाढाल;

d) उत्पादनांचो कच्चो माल आनी बाजारणीचो स्त्रोत.

**5.3.7 आप मजत गटांक भांडवल गुंतवणूकी खातीर क्रॅडीट जोडील्ले अनुदाना खातीर पात्रता निकशः**

i) आप मजत गटां कडेन प्रकल्प खर्चाचो 10% पुराय करपा खातीर पर्याप्त स्वयं निधी आनी कार्यकारी भांडवला खातीर वा राज्य सरकारा कडल्यान अनुदान म्हूण मंजूर जावपा खातीर 20% मार्जीन पयशे आसप गरजेचें आसा;

ii) आप मजत गटाच्या वांगड्यां कडेन ओडीओपी उत्पादनाचेर प्रक्रिया करपाचो कमीत कमी 3 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

## 6.0 सामान्य साधनसुविधे खातीर सहायता

6.1 ऍफपीओ, आप मजत गट, सहकारी संस्था, खंयचीय सरकारी एजन्सी वा खासगी उद्येगांक सामान्य साधनसुविधां खातीर सहाय्य दितले. क्षमतेच्या पर्याप्त भागा खातीर हे येवजणे अंतर्गत तयार केल्ली सामान्य साधनसुविधा हेर युनीट आनी लोकांक वापरूपा खातीर भाड्यान दिवंक लेगीत उपलब्ध आसूंक जाय. ह्या प्रवर्गांतल्या प्रकल्पांची पात्रताय व्हडा प्रमाणांत शेतकार आनी उद्येगाच्या फायद्याचेर, वेव्हार्यताय अंतर, खासगी गुंतवणूकीची अनुपस्थिती, मोल सांखळी गंभीरताय आदींचेर आदारीत थारयतले. क्रेडीट लिंक्ड अनुदान 35% च्या दरान उपलब्ध आसतलें. अश्या प्रकरणांत अनुदानाची चडावंत मर्यादा विहीत केल्ले प्रमाणें आसतली.

## 6.2.येवजणे अंतर्गत अनुदानीत सामान्य साधनसुविधांचे प्रकारः

हे येवजणे अंतर्गत सकयल दिल्ले प्रमाणें सामान्य साधनसुविधांक निधी सहायता दितले :

i) कृषी उत्पादनांची परिक्षा, वर्गीकरण, ग्रेडींग, गुदांव आनी फार्म-गेटीर थंड स्टोरेजा खातीर जागो;

ii)ओडीओपी उत्पादनांच्या प्रक्रिये खातीर सामान्य प्रक्रिया सुविधा;

iii)उद्भवन केंद्रांत एक वा अधीक उत्पादनांच्या लायनींचो आसपाव आसचो, ज्यो ल्हान युनिट्सांक तांच्या उत्पादनांच्या प्रक्रिये  खातीर भाड्याच्या आदाराचेर वापरूंक मेळटल्यो. हें उद्भवन केंद्र अंशतः प्रशिक्षण उद्देशा खातीर वापरू येता. तें वेवसायीक आदाराचेर चलूंक जाय.

## 6.3 ऍफपीओ/ऍसऍचजी/सहकारा वरवीं समूहां खातीर सामान्य साधनसुविधा आनी भांडवल गुंतवणूकी खातीर प्रस्ताव धाडपाची प्रक्रिया:

6.3.1. येवजणे अंतर्गत ऍफपीओ/ऍसऍचजी/सहकारी संस्था कडल्यान सामान्य साधनसुविधा आनी भांडवल गुंतवणूकी खातीर निधी मेळोवंक सकयल दिल्ले प्रमाणें प्रक्रियेचे पालन करतले:

i) भांडवली गुंतवणूक आनी सामान्य साधनसुविधेच्या येवजणे अंतर्गत सहाय्य मेळोवपा खातीर डीपीआर विहीत नमुन्या प्रमाणें तयार करतले;

ii)डीपीआरांत प्रस्तावाची आवश्यक माहिती, तपशिलान प्रकल्प खर्च, प्रस्तावीत मनीसबळ, एकंदर उत्पन्न, बाजारणी चॅनेल, कच्चो माल स्रोत, अदमासीत लाव आनी लुकसाण खाते, रोख प्रवाह विवरण आनी हेराचो तपशील आसतलो.

iii) डीपीआर राज्य नोडल एजन्सी कडेन धाडचो. ऐंसऐंलएसीन प्रस्तावाक मान्यताय दिल्या उपरांत, ऐंसऐंनए हांणी प्रस्तावाची शिफारस ऐंमओऐंफपीआय कडेन करची. 10 लाख रुपया परस चड अनुदानाक समुहाच्या सहाय्या खातीरचो खंयचोय प्रस्ताव मान्यताये खातीर ऐंमओऐंफपीआय कडेन धाडचो.

iv) ऐंमओऐंफपीआयन प्रस्तावाक मान्यताय दिल्या उपरांत, रीण मंजूरी खातीर प्रस्ताव अर्थीक संस्थे कडेन धाडचो.

v) डीपीआरांत समूह वांगड्याक प्रशिक्षण कालावधी आनी मॉड्यूलाच्या आदाराचेर प्रशिक्षण सहायता आनी कुशळताय विकास आनी उद्येजकता मंत्रालयाच्या किंमती प्रमाणें हांचेर आदारीत प्रस्ताव आसूं शकता. प्रशिक्षण येवजणे अंतर्गत प्रशिक्षण आनी तांक वाडोवपाच्या घटकांक पुराय निधी दितले.

vi) डीपीआर तयार करूंक ऐंफपीओ/ऐंसऐंचजी/सहकार हांकां 50000 रुपया प्रती प्रकरणां प्रमाणें सहाय्य उपलब्ध करतले.

vii) बँके कडल्यान रीण मंजूर जाल्या उपरांत अनुदान संवितरण अर्जदार संस्थेच्या बँक खात्यांत जमा करूंक जाय.

## 7.0 ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी सहायता

7.1 येवजणे अंतर्गत बाजारणी आनी ब्रॅण्डींग सहायता ऐंफपीओ/ऐंसऐंचजी/सहकार समूह वा सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देगांच्या ऐंसपीव्हीक दितले. ओडीपी पद्दती उपरांत राज्य वा प्रादेशीक स्तरा वयल्या उत्पादनांक बाजारणी आनी ब्रॅण्डींग सहायता दितले.

### 7.2 सहायता खातीर पात्रताय नगः-

i) बाजारणी संदर्भांतल्या प्रशिक्षण येवजणे अंतर्गत पुराय निधी उपलब्ध करतले;

ii) सामान्य पॅकेजिंगांत भाग घेवंक मानकीकरणां सयत सामान्य ब्रॅण्ड आनी पॅकेजींग विकसीत करप;

iii) राष्ट्रीय आनी प्रादेशीक किरकोळ चैन आनी राज्य स्तरीय संस्थे कडेन बाजारणी

iv) उत्पादनाची गुणवत्ता आवश्यक मानक पुराय करता हांची खात्री करूंक गुणवत्ता नियंत्रण.

7.3 बाजारणी आनी ब्रॅण्डींग सहायता करूंक सामान्य ब्रॅण्ड, सामान्य पॅकेजिंग आनी उत्पादनांचे मानकीकरण विकसीत करप आवश्यक आसा. सामान्य ब्रॅण्डींग आनी पॅकेजिंग खातीरची योग्य पातळी ही ठिकाणा प्रमाणें, प्रकरणां प्रमाणें आनी उत्पादनां प्रमाणें वेगवेगळी आसतात. ते जिल्लो, प्रादेशीक वा राज्य स्तरीय आसचें, प्रत्येक प्रकरणांत ऍसऍनए निर्णय घेतले. म्हणून, बाजारणी आनी ब्रॅण्डिंगा खातीर सहायता दिवपाचो प्रस्ताव ऍसऍनएन तयार करूंक जाय. ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी खातीरची सहायता ही वट्ट खर्चाच्या 50 टक्क्यां मेरेन मर्यादीत आसतली. अश्या प्रकरणांत अनुदानाची चडावत मर्यादा ही विहीत केल्ले प्रमाणें आसतली. ह्या येवजणे अंतर्गत घावूक दुकानां उगडूंक कसलीच सहायता दिवचें नात.

7.4 ओडीओपी फोकसा खातीर वयर वर्णन केल्ल्या प्रमाणें, राष्ट्रीय स्तरा वयल्या वर्टिकल प्रॉडक्ट्साच्या ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी सहायता दिवंक शकता. सामान्य ब्रॅण्डींग /पॅकेजींग आनी बाजारणी खातीर अश्या तरेची सहायता राष्ट्रीय स्तराचेर दितले. ह्या सहायता खातीरचे प्रस्ताव राज्य वा राष्ट्रीय स्तरा वयल्यो संस्था वा संघटणां वा भागिदारी संस्थांनी ऍमओऍफपीआय कडेन धाडचें.

**7.5 पात्रतायेचे निकश:**

7.5.1 सकयल दिल्ल्यो अटी प्रस्तावांत पुराय करच्यो:

i) प्रस्ताव ओडीओपी संबंदीत आसचो;

ii) एकंदर उत्पन्न जर 5 कोटी रूपया मेरेन आसल्यारूच उत्पादनाच्या सहाय्या खातीर पात्र थारतले;

iii) निमणे उत्पादन हे किरकोळ पॅकांत उपभोक्त्याक विकतले;

iv)अर्जदार हे व्हडा प्रमाणांत उत्पादकांक एकठांय हाडपी ऍफपीओ/ऍसऍचजी/सहकार/प्रादेशीक-राज्य स्तरीय ऍसपीव्ही आसतले.

v) उत्पादन आनी उत्पादक व्हडा स्तरा वयले मापनीय आसूंक जाय

vi) जायरात करपी संस्थेचे वेवस्थापन आनी उद्येजकताय क्षमता प्रस्तावांत नमूद करूंक जाय.

**7.6 ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी अंतर्गत सहाय्या खातीर अर्ज करपाची प्रक्रिया**

### 7.6.1 तपशीलवार प्रकल्प अहवाल तयार करप:

i) प्रस्तावा खातीर डीपीआर तयार करूंक जाय जातूंत प्रकल्पाची आवश्यक माहिती, उत्पादन, रणनिती, गुणवत्ता, उत्पनांची एकठावणी, सामान्य पॅकेंजींग आनी ब्रॅण्डींग, जायरात तपशील, गुदांव आनी सांठो, बाजारणी चॅनेल, विक्रीत वाड करपा खातीर येवजण आनी हेर गजालींचो आसपाव आसूंक जाय.

ii) बाजारणी आनी ब्रॅण्डींगच्या प्रस्तावां खातीर डीपीआर तयार करूंक ऍसऍनए कडल्यान 5 लाख रुपया मेरेन सहाय्य उपलब्ध आसतले.

iii) ह्या प्रस्तावांत कच्च्या मालाची अधिप्राप्ती ते बाजारणी मेरेनचो उपक्रम, म्हत्वाचे नियंत्रण बिंदू, गुणवत्ता नियंत्रणाची खात्री करप, फुडल्या 5 वर्साच्या येवजणे खातीर जायरात उपक्रम, सहभागी जाल्ल्या उत्पादकांची संख्या वाडोवप आनी एकंदर उत्पन्न ह्या विशींचो फ्लो चार्ट तयार करप

7.6.2 सहकारी/ऍसऍचजी/ऍफपीओ/ऍसपीव्ही, अग्रणी खरेदीकार, जर आसल्यार, आनी ऍसऍनएच्या मदीं वेवसाय येवजणे सयत एक करार करूंक जांय, जातूंत उत्पादकांच्या भांडवलाच्या आनी सेवेच्या गरजांचें आनी प्रस्तावीत केल्ल्या सुदारणांचें वर्णन आसचें, जाका लागून तांका तांची उत्पादन क्षमता आनी कुशळताय वाडोवन, बाजारणी म्हणजेच अग्रणी खरेदीकाऱ्यां कडेन आशिल्ली तांची संलग्नता मजबूत करूंक मजत जातली.

## 8.0 क्षमताय निर्माण आनी संशोधन

### 8.1 राष्ट्रीय संस्थांक सहायता:

8.1.1 क्षमता विकास आनी प्रशिक्षण हे तंत्रीक सुदारणां आनी सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया ऍण्टरप्रायजांचे स्थापनेंत म्हत्वांचे घटक आसात. राष्ट्रीय स्तराचेर, राष्ट्रीय अन्न प्रक्रिया तंत्रगिन्यान उद्येजिकताय आनी वेवस्थापन संस्था (ऍनआयऍफटीईऍम) आनी भारतीय अन्न प्रक्रिया तंत्रगिन्यान संस्थेची (आयआयऍफपीटी) क्षमता वाडोवप आनी संशोधनांत म्हत्वाची भुमिका आसा. संशोधन आनी क्षमताय निर्माण करपा खातीर अर्थीक सहाय्याक पात्र आसतले. ऍनआयऍफटीईऍम आनी आयआयऍफपीटी हे राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थांच्या भागिदारीन वेंचीक ऍण्टरप्राजीस/समूह/चोंब्यांक प्रशिक्षण आनी संशोधन सहायता दिवप. आयसीएआर, सीऍलआयआर अंतर्गत राष्ट्रीय स्तरा वयल्या उत्पादन विशिश्ट संस्था वा डीऍफआरऍल आनी

सीऍफटीआरआय ह्या सारकिल्ल्यो मुखेल संस्था प्रशिक्षण आनी संशोधना खातीर देशांतल्या व्हर्टिकल  स्तराचेर सहायता दिवंक भागिदारी संस्था आसतली.

**8.1.2 ऍनआयऍफटीईऍम आनी आयआयऍफपीटी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें उपक्रम राबयतले:**

i) ऍमओऍफपीआय, राज्य आनी जिल्लो अधिकाऱ्यां खातीर क्षमताय निर्माण करप आनी प्रशिक्षण;

ii) अभ्यासक्रम आनी प्रशिक्षण मॉड्युल्स तयार करप आनी सूक्ष्म ऍण्टरप्रायजीस आनी समुहांत मुखार प्रशिक्षण दिवंक राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थां कडेन भागिदारी विकसीत करप;

iii) प्रशिक्षकांचे प्रशिक्षण;

iv) प्रशिक्षणा खातीर ऑनलायन मॉड्युल्स विकसीत करप;

v) सूक्ष्म युनिटाच्या विशेश उत्पादनां खातीर मानक सविस्तर प्रकल्प अहवाल (डीपीआर) तयार करप;

vi) सूक्ष्म युनिटाच्या सुदारणे खातीर तंत्रगिन्यान / मशिनां टप्प्या टप्प्यान विकसीत करप;

vii) वयल्या उपक्रमां खातीर, हेर संशोधन आनी प्रशिक्षण संस्थां कडेन भागिदारी करप;

vii) येवजणेच्या आवश्यकतेची पुर्तता करपा खातीर राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्था मजबूत करप.

8.1.3 ऍनआयऍफटीईऍम आनी आयआयऍफपीटीन ह्या येवजणे खातीर तांच्या संस्थेंत विहीत केल्ले रचने प्रमाणें एक पीऍमयू स्थापन करतले. ह्या पीऍमयू खातीर, कंत्राटी पद्दतीचेर कर्मचारी घेतले. ह्या पीऍमयूचो पुराय खर्च भागोवपा खातीर ऍनआयऍफटीईऍम आनी आयआयऍफपीटीच्या येवजणे अंतर्गत अनुदान दितले.

8.1.4 ऍनआयऍफटीईऍम आनी आयआयऍफपीटी अर्थसंकल्पांत तांणी प्रस्तावीत केल्ल्या उपक्रमां खातीर प्रकल्प अंमलबजावणी येवजण (पीआयपी) तयार करची आनी ऍमओपीऍफआय कडेन दाखल करप. ऍमओपीऍफआयची क्षमताय निर्माण आनी संशोधन समिती पीआयपीची तपासणी करतले आनी तांचे खातीर आयऍमईसी कडल्यान मंजुरी घेतले.

पीआयपीत मंजूर केल्ल्या उपक्रमां खातीर ऍनआयऍफटीईऍम आनी आयआयऍफपीटी येवजणे अंतर्गत, ऍमओपीऍफआय वरवीं हॅण्डहोल्डींग दितले.

**8.2 राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थांक सहायता**

8.2.1 राज्य सरकारान येवजणे खातीर, एक राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्था नामांकीत करची. तांचे उपक्रम सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसतले:

i) राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थे खातीर पीआयपी तयार करप;

ii) क्षमताय निर्माण आनी संशोधना संबंदीत ऍसऍनए वरवीं तयार केल्ल्या पीआयपीक माहिती दिवप;

iii) राज्य आनी जिल्लो अधिकाऱ्यां खातीर क्षमताय निर्माण आनी प्रशिक्षण आयोजीत करप;

iv) जिल्लो संसाधन व्यक्तीं खातीर प्रशिक्षण आयोजीत करप;

v) ऍसएऍन तयार केल्ल्या ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी येवजणे खातीर माहिती दिवप;

vi) जिल्लो संसाधन व्यक्तीक सूक्ष्म ऍण्टरप्रायजिसांक निधी दिवंक, डीपीआर तयार करूंक आनी हेरां खातीर मार्गदर्शक सहायता उपलब्ध करप;

8.2.2 नामांकीत केल्ल्या राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थेन प्रस्तावीत उपक्रमां खातीरच्या वर्सुकी प्रशिक्षण कॅलेण्डरा सयत पीआयपी तयार करप आनी ऍनआयऍफटीईऍम आनी आयआयऍफपीटी सल्ल्या प्रमाणें राज्य स्तरीय मंजुरी समितीच्या मंजुरी उपरांत ऍमओऍफपीआय कडेन धाडचें.

8.2.3 **राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थे खातीर वेंचणी निकश:** राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्था ही अन्न प्रक्रिया तंत्रगिन्यानांत आसपाविल्ली विद्यमान संस्था आसची. ही संस्था अशी आसूंक शकता:

i) राज्य कृषी विद्यापीठ वा हेर खंयच्याय विद्यापिठां अंतर्गत महाविद्यालय/संस्था;

ii) राज्याच्या मालकीची अन्न प्रक्रिया तंत्रगिन्यान संशोधन संस्था;

iii) अन्न प्रक्रियेचेर लक्ष केंद्रीत करपी सीऍसआयआर अंतर्गत खंयचीय संस्था वा भारत सरकाराची खंयचीय संस्था;

iv) जर ते महाविद्यालय आसत जाल्यार, थंय अन्न प्रक्रिया तंत्रगिन्यानांतले पदवीपूर्व/पदव्युत्तर अभ्यसक्रम आनी आवश्यक शिक्षक वर्ग आसूंक जाय;

v) संस्थे कडेन आवश्यक त्यो चांचण्यो आनी प्रक्रियांची उपकरणां आशिल्ली परिपूर्ण प्रयोगशाळा आसूंक जाय;

vi) संस्थेत संशोधन कार्य आनी उत्पादन विकासाचे कार्य करपी शिक्षक वर्ग आसूंक जाय आनी विशेश रुपान ऍमऍसऍमई खातीर अन्न प्रक्रियेची मशिनरी आसूंक जाय;

vii) राज्य सरकारान ह्या प्रस्तावाची शिफारस करूंक जाय;

viii) संस्थेन एक केंद्रक अधिकाऱ्याची आनी समर्पीत पंगडाची नेमणूक करपाची इत्सा आसची जातूंत फकत येवजणेचेर पुरायपणान लक्ष केंद्रीत करपी किमान दोन शिक्षक वर्ग आसचे.

ix) येवजणे अंतर्गत लाभार्थ्यांक प्रशिक्षण घेवंक संस्थे कडेन फावोसो बांदिल्लो जागो आसूंक जाय;

x) राज्या खातीर ओडीओपी अंतर्गत कांय उत्पादनांचेर प्रक्रिया करूंक संस्थे कडेन प्राधान्यपणान पायलट प्लाण्ट्स आसूंक जाय;

**8.3 व्यक्तींक/ गटांक प्रशिक्षण सहायता**

8.3.1 भांडवली गुंतवणुकी खातीर सहायता दिल्ल्या स्वतंत्र युनिट्स आनी गटांक प्रशिक्षण सहायता दितले. हाचे अतिरिक्त, ओडीओपी उत्पादनांची प्रक्रिया करपी जिल्ल्यांतल्या हेर विद्यमान युनिट्स आनी समुहाक प्रशिक्षण सहायता दितले. येवजणे अंतर्गत बाजारणी आनी ब्रॅण्डींगा खातीर सहायता दिल्ल्या गटांक प्रशिक्षण सहायता दितले.

8.3.2 प्रशिक्षणाचेर खर्च करूंक कुशळटाय उदरगत आनी उद्येजकताय मंत्रालयान (ऍमऍसडीई) प्रति वरां प्रमाणे दर निर्धारीत केल्यात. होच न्यूनतम मानदण्ड दर येवजणे खातीर वापरतले. प्रशिक्षणाची पद्दत आनी प्रशिक्षणाच्या वरांची संख्या ही विहीत नेमां प्रमाणेंच आसतली.

8.3.3 येवजणे अंतर्गत क्षमताय निर्माण करपा खातीर सकयल दिल्ल्या गजालींचेर लक्ष केंद्रीत केलां:

i) उद्येजकताय विकास, ऍण्टरप्रायज प्रणालीची म्हत्वपूर्ण कार्यां, बाजारणी, बुक किपींग, नोंदणी, ऍफऍसऍसएआय मानक, उद्येग आदार, जीऍसटी नोंदणी, सर्वसादारण नितळसाण आनी हेर;

ii) ओडीओपी उत्पादन आनी युनीट निर्माण केल्ल्या उत्पादनां सयत आवश्यक मशिनांचें परिचालन, नितळसाणीच्यो समस्या, पॅकेजींग, सांठो, अधिप्राप्ती, नवें उत्पादन विकास आनी हेरां खातीर तयार केल्ले विशिश्ट प्रशिक्षण.

**8.3.4 प्रशिक्षणांचें माध्यम**

i) सगळ्या युनिटांक लागू जावपी सर्वसामान्य प्रशिक्षणा खातीर ऑनलायन मॉड्युल्स वापरतले;

ii) शक्य आसल्यार आरऍसईटीआय भौतीक साधनसुविधा वापरून, जिल्ल्यांक ओडीओपी खातीर उत्पादन विशिश्ट प्रशिक्षण दितले;

iii) प्रशिक्षण हे सप्तकी तत्वांचेर ल्हान मॉड्युल्सांत दृक-श्राव्य माध्यमांचो उपेग करून जिल्ल्यांत आयोजन करूंक जाय, जाकां लागून विद्यमान वेवसाय परिचालनाक कमीत कमी त्रास जातलो;

iv) युनिटां वरवीं खरेदी केल्ल्या मशिनांचें काम आनी नितळसाण आनी पॅकेजिंगांचें प्रशिक्षण हो प्रशिक्षणाचो म्हत्वाचो घटक आसतलो. ताका लागून, जिल्ल्यांत वा जिल्ल्या भायर ती मशिनां वापरपी अश्या लाभार्थ्यां खातीर प्रशिक्षणाचो विशिश्ट घटक अल्प कालावधी खातीर सुरू केल्लो आसा.

8.3.5 **निधी सहायता :** सूक्ष्म अन्न ऍण्टरप्रायजिसांक निधी सहायता दिवंक जिल्लो/प्रादेशीक स्तराचेर संसाधन व्यक्तींक (आरपी) नियुक्त करपाचो येवजणेचो विचार आसा. हे आरपी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें कार्य करतले :

i)डीपीआर तयार करप, बँकेतल्यान रीण मेळोवप, प्रशिक्षण, युनिटांनी सुदारणां करप, आवश्यक ती नियामक मंजुरी मेळोवप, नितळसाण आनी हेर गजाली खातीर सूक्ष्म ऍण्टरप्रायजिसांक निधी सहायता दिवप;

ii)पीआयपी आनी ओडीओपी आनी चोब्यांनी अभ्यास आनी समुहाच्या अभ्यासा खातीर माहिती पुरवण करप;

iii) वैयक्तीक सूक्ष्म ऍण्टरप्रायजिसांक आनी समुहांक दिल्ली सब्सिडी आनी मुदल रकमे खातीर अर्जांची आनी समान सुविधांची निवड करप आनी तांची सोय करप;

## 9.0 संस्थागत वास्तुशिल्प

9.1 येवजणे खातीर सगळ्या प्रशासकीय स्तराचेर एक मजबूत संस्थागत वास्तुशिल्प तयार करतले. येवजणेच्या अंमलबजावणी खातीर आनी तांच्या प्रगतीचेर देखरेख दवरूंक राष्ट्रीय, राज्य आनी जिल्लो स्तराचेर (धोरणाच्या मार्गदर्शना खातीर) समिती स्थापन करतले. ह्यो समिती, ऍमओऍफपीआयच्या राष्ट्रीय कार्यावळ विभागाच्या आनी राज्य नोडल ऍजन्सीच्या कारभाराचे निरिक्षण करतले. हांचे अतिरिक्त, ऍमओऍफपीआयच्या राष्ट्रीय कार्यावळ विभागाचे आनी राज्य नोडल ऍजन्सीक सहायता करूंक सल्लागार आनी तज्ञांचो समावेश आशिल्लें प्रकल्प वेवस्थापन युनीट (पीऍमयू) स्थापन करतले. संस्थागत वास्तुशिल्प सकयल दिल्ल्या तकट्यांत स्पश्ट केला आनी सकयल दिल्ल्या विभागांत तांचे वर्णन केलां:

**चित्र 1: संस्थागत वास्तुशिल्प**

| English | Konkani |
|---|---|
| Inter-Ministerial Committee (IMEC) MoFPI (National Programme Division) | आंतर- मंत्रालयीन समिती (आयऍमईसी) ऍमओऍफपीआय (राष्ट्रीय कार्यावळ विभाग) |
| Project Executive Committee (PEC) | प्रकल्प कार्यकारी समिती (पीईसी) |
| Committee on Capacity Building and Research | क्षमताय निर्माण आनी संशोधनाची समिती |
| National Programme Management Unit (NPMU) | राष्ट्रीय कार्यावळ वेवस्थापन युनीट (ऍनपीऍमयू) |
| National Apex Institutions NIFTEM/IIFTPT etc. | राष्ट्रीय सर्वोच्च संस्था ऍनआयऍफटीईऍम/आयआयऍफटीपीटी आनी हेर. |
| State Level Technical Institutions | राज्य स्तरीय तांत्रिकी संस्था |
| State Level Approval Committee | राज्य स्तरीय मान्यताय समिती |

| | |
|---|---|
| (SLAC)<br>State Nodal Department | (ऍसऍलएसी)<br>राज्य नोडल खातें |
| State Nodal Department /Agency | राज्य नोडल खातें/ऍजन्सी |
| District Level Committee (DLC) | जिल्लो स्तरीय समिती (डीऍलसी) |
| State Programme Implementation Unit (SPMU) | राज्य कार्यावळ अंमलबजावणी युनीट (ऍसपीऍमयू) |
| Resource Persons (RP) | संसाधन व्यक्ती (आरपी) |

## 9.2 राज्य स्तरीय बांदावळ

### 9.2.1 आंतर मंत्रालय उच्चाधिकार समिती:

9.2.1.1 राष्ट्रीय स्तराचेर, अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्र्याच्या अध्यक्षते खाला एक आंतर मंत्रालय उच्चाधिकार समिती (आयऍमईसी) आसतली, जांची संरचना सकयल दिल्ले प्रमाणें आसतली.

**तकटो (Table) 1: आयऍमईसीचा रचना**

| | रचना | हुद्दो |
|---|---|---|
| 1. | मानादीक अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्री | अध्यक्ष |
| 2. | मानादीक अन्न प्रक्रिया उद्देग राज्यमंत्री | उपाध्यक्ष |
| 3. | सचीव, अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय, भारत सरकार | वांगडी |
| 4. | सचीव, कृषी, सहकार आनी शेतकरी कल्याण खातें, भारत सरकार | वांगडी |
| 5. | सचीव, पशुसंवर्धन आनी दूद वेवसाय खातें, भारत सरकार | वांगडी |
| 6. | सचीव, कृषी संशोधन आनी शिक्षण, भारत सरकार | वांगडी |
| 7. | सचीव, नुस्तें वेवसाय खातें, भारत सरकार | वांगडी |
| 8. | सचीव, शार उदरगत आनी घरनिर्माण खातें, भारत सरकार | वांगडी |

| | | |
|---|---|---|
| 9. | सचीव, ग्रामीण विकास मंत्रालय, भारत सरकार | वांगडी |
| 10. | सचीव, कौशल्य विकास आनी उद्योजकता मंत्रालय | वांगडी |
| 11. | सचीव, ऍमऍसऍमई मंत्रालय, भारत सरकार | वांगडी |
| 12. | अध्यक्ष, ऍफऍसऍसएआय | वांगडी |
| 13. | अध्यक्ष, ऍनऍसडीसी | वांगडी |
| 14. | नाबार्डाचो प्रतिनिधी | वांगडी |
| 15. | एऍस ऍण्ड ऍफए, अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय | वांगडी |
| 16. | निती आयोगाचो प्रतिनिधी | वांगडी |
| 17. | मिशन संचालक, (अतिरीक्त/जोड सचीव ह्या श्रेणीचे वा तांच्या वयल्या श्रेणीचे अधिकारी), अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय | वांगडी सचीव |

9.2.1.2 ऍमओऍफपीआय वरवीं आयऍमईसी, पीईसी आनी क्षमताय निर्माण आनी संशोधना वयल्या हेर खंयचोय वांगडी नामांकीत करूंक शकतात. आयऍमईसीची तिमाहीत किमान एकदा तरी बसका जातली आनी ती येवजणेक दिशा दिवपी आनी अंमलबजावणी मार्गदर्शना खातीर धोरण थारावपी संस्था आसतली आनी येवजणेच्या प्रगती आनी कामगिरीचेर देखरेख दवरून तांचो नियाळ घेतले.

**9.2.1.3** आयऍमसीचीं कार्यां सकयल दिल्ले प्रमाणें आसतलीं:

i) **सकयल दिल्ले प्रमाणें मंजुरी दिवप**

ए) येवजणे खातीर मार्गदर्शक सुचोवणी;

बी) ऍसऍलऍसी वरवीं योग्य मंजुरी मेळ्ळया उपरांत राज्यान सादर केल्लो पीआयपी;

सी) तज्ञ संस्थांची वळेरी करप;

डी) 10 लाख रुपया वयर प्रकल्प आकार आशिल्ल्या प्रस्तावांक मंजुरी;

ई) क्षमताय निर्माण आनी संशोधना खातीर पीआयपी;

**ii) सकयल दिल्ल्या प्रमाणें नियाळ घेवप:**

ए) पीआयपीची अंमलबजावणी;

बी) विवीध अध्ययन;

सी) ऍमओऍफपीआय आनी राज्य ऍजन्सी खातीर क्षमताय निर्माण करपी उपक्रम;

डी) ऍण्टरप्रायजीस आनी समुहाक कुशळताय आनी ईडीपीचेर प्रशिक्षण दिवप – प्रशिक्षण समितीच्या अभिप्राया प्रमाणें योग्य वेळार प्रशिक्षणांचो व्यापक नियाळ घेतले;

ई) राज्य संस्था मजबूत करूंक हातांत घेतिल्ले उपक्रम:

ऍफ) सूक्ष्म ऍण्टरप्रायजीस आनी समुहांक नोडल बॅंके सयत योग्य वेळार सब्सिडी वितरण करप;

ii) वयर मंजुर आनी नियाळाच्या उपक्रमां अतिरिक्त, आयऍमईसी वरवीं सकयल दिल्ले प्रमाणें उपक्रम हातांत घेतले:

ए) तिमाही मोख थारावप आनी तांचो नियाळ घेवप;

बी) आंतर-मंत्रालय सहकार आनी अभिसरणाची देखरेख करप;

सी) एकंदर येवजणेच्या प्रगतीचे निरीक्षण करप;

डी) राज्यांच्या कामगिरीचे निरीक्षण करप;

ई) येवजणेच्या अंमलबजावणी संदर्भात हेर खंयचेय मुद्दे;

### 9.2.2 प्रकल्प कार्यकारी समितीः

9.2.2.1 येवजणेची नियमीत देखरेख आनी अंमलबजावणी खातीर अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालयान प्रचालनी स्तराचेर एक प्रकल्प कार्यकारी समिती घडयल्या, जांची रचना सकयल दिल्ले प्रमाणें आसतली:

**तकटो 2 : पीईसीची रचना**

| | | |
|---|---|---|
| (i) | अतिरिक्त सचीव, ऍमओऍफपीआय | अध्यक्ष |
| (ii) | अतिरिक्त/जोड सचीव – वाणिज्य, कृषी, ग्रामीण विकास, पशुसंवर्धन आनी डेअरी, नुस्तें वेवसाय, ऍमऍसऍमई, ऍमऍसडीई, शार उदगरत आनी घरनिर्माण आनी निती आयोग मंत्रालय/खातें | वांगडी |
| (iii) | एऍस ऍण्ड ऍफए, अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय | वांगडी |
| (iv) | एपीईडीए, ऍमपीईडीए, ऍनआयऍफटीईऍम, आयआयऍफपीटी, सीऍफटीआरआय, राष्ट्रीय फलोत्पादन मंडळ (ऍनऍचबी), ऍफऍसऍसएआय, नाबार्डाचे प्रतिनिधी | वांगडी |

| | | |
|---|---|---|
| (v) | अन्न प्रक्रिया, बँकिंग/वित्त आनी बाजारणीतले तज्ञ | वांगडी |
| (vi) | टीआरआयएँफईडी, एँनसीडीसी, एँनएँससीएँफडीसी आनी एँसएँफएसी ह्या भागिदार संस्थांचे नामनिर्देशीत व्यक्ती | वांगडी |

9.2.2.2 कार्यकारी समितीची म्हयन्यांतल्यान एकदां बसका जातली आनी तांची कार्या सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसतली:

**i) सकयल दिल्ल्या प्रमाणें मंजुरी दिवप:**

ए) राज्याच्या, राष्ट्रीय संस्थांची, राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थांची पीआयपी सयत आयएँमईसीच्या मंजुरी खातीर सादर केल्ल्या सगळया प्रस्तावांची आनी राज्यांत 10 लाख रुपया परस चड प्रस्तावीत केल्ल्या मंजुरी खातीरच्या प्रकल्पांची तपासणी;

बी)एँनपीएँमयू स्थापीत करप;

सी) भारत सरकारा वरवीं खर्च करपी वस्तुंच्या येवजणे अंतर्गत प्रकल्प आनी 10 लाख रूपया मेरेन मर्यादा आशिल्ल्या 100 टक्के केंद्रीय वांटो आशिल्ल्या प्रकल्पाक मंजुर करप;

डी) वैयक्तीक लाभार्थ्यांक भारत सरकाराचो वांटो म्हणून जुळटें अनुदानाचो 60 टक्के वितरीत करप;

ई) आयईसी प्रस्ताव;

एँफ) एँमआयएँस संबंदी निर्णय;

**ii) सकयल दिल्ल्या प्रमाणें नियाळ घेवप:**

ए) नोडल बँके सयत सूक्ष्म एँण्टरप्रायजीसांक आनी समुहांक वेळार अनुदान वितरीत करप आनी गरजेच्या वेळार आयएँमईसी वाड दिवप;

iii) वयर मंजुर आनी नियाळाच्या उपक्रमां व्यतिरिक्त, पीईसी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें उपक्रम हातांत घेतले:

ए) आयएँमईसी वरवीं थारायिल्ल्या वर्सुकी मोखांच्या अनुरूप, येवजणे खातीर म्हयन्याची मोख थारावप;

बी) पोर्टलाच्या माध्यमांतल्यान आनी प्रभावी डॅशबोर्ड देखरेखीच्या माध्यमांतल्यान येवजणेच्या प्रगतीची देखरेख करप:

सी) आंतर-मंत्रायल सहकार;

### 9.2.3 क्षमताय निर्माण आनी संशोधनाचेर समिती:

9.2.3.1 प्रशिक्षण आनी संशोधनाच्या स्वरूपांचे निरीक्षण करूंक, राष्ट्रीय स्तराचेर क्षमताय निर्माण आनी संशोधनाचेर समिती आसतली. प्रमूख उद्देग तज्ञ ह्या समितीचे अध्यक्ष आसतले. समितीचे वांगडी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसतले:-

तकटो 3 –ऍमओऍफपीआय ( MoFPI) प्रशिक्षण समितीची रचना

| | | |
|---|---|---|
| i | उद्देगीक तज्ञ | अध्यक्ष |
| ii | कुलगुरू, ऍनआयऍफटीईऍम/<br>संचालक, आयआयऍफपीटी | वांगडी |
| iii | कौशल्य प्रशिक्षण हाताळपी जेऍस, ऍमओऍफपीआय | वांगडी |
| iv | जेऍस, ऍमऍसडीई | वांगडी |
| v | अन्न क्षेत्रांतल्या कौशल्य मंडळाचे प्रतिनिधी | वांगडी |
| vi | सीऍफटीआरआय/<br>डीऍफआरऍल/संबंदीत आयसीएआर संस्थांचे प्रतिनिधी | वांगडी |
| vii | ग्रामीण विकास मंत्रालयाचें प्रतिनिधी | वांगडी |
| viii | कार्यक्रम संचालक, ऍमओऍफपीआय वरवीं नांव-निर्देशीत केल्ले प्रमाणें बॅंकिंग/वित्त आनी बाजारणी/ब्रॅण्डिंगांतलो तज्ञ. | वांगडी |

9.2.3.2 क्षमताय निर्माण आनी संशोधन करूंक समितीची कार्या सकयल दिल्ले प्रमाणें आसतली.

**1. सकयल दिल्ल्या गजालींक मान्यताय:**

i) येवजणे खाला क्षमताय निर्माण करूंक आनी संशोधन कार्या चलोवपा खातीर मार्गदर्शन.

ii) पीईसी/आयएॅमईसी वतीन फुडले अर्थीक मान्यताये खातीर एॅमओएॅफपीआय, राज्य आनी जिल्लो एॅजन्सी हांच्या कार्याची क्षमताय निर्माण करपा खातीर प्रस्ताव.

iii) एण्टरप्रायजीस आनी गटांक खातीर राष्ट्रीय आनी राज्य एॅजन्सी वरवीं दिवपाच्या प्रशिक्षणां खातीर कॅलेंडर आनी अभ्यासक्रम.

iv) एण्टरप्रायजीसा खातीर एॅफयूपीज आनी डीपीआर च्या हॅण्डहोल्डींग मॉड्युला खातीर अभ्यासक्रम.

**2. सकयल दिल्ल्या कार्याचो नियाळ**

i) राष्ट्रीय, राज्य एॅजन्सी आनी जिल्लो संसाधनी व्यक्तीं वरवीं मंजूर केल्ल्या प्रशिक्षण कॅलेंडरा प्रमाणें दिल्लें प्रशिक्षण.

9.2.4 **राष्ट्रीय कार्यावळ वेवस्थापन युनीट (एॅनपीएॅमयू):** कंत्राटी तत्वाचेर आसपावन घेतिल्ल्या वेवसायिकांचो राष्ट्रीय स्तराचेर समावेश आशिल्लो एक पीएॅमयू आसतलों. हो पीएॅमयू, एॅमओएॅफपीआयच्या कार्यक्रम विभागाक, वयर सुचीबध्द केल्ली सगळी कार्या चलोवपा खातीर पुराय आदार दितलो. एॅनपीएॅमयूची विशिश्ट कार्या सकयल दिल्ल्या गजालींचो समावेश करतलीं.

i) आवश्यक आशिल्ली टॅम्पलेट्स तयार करप, पीआयपी आनी अभ्यास वेळार पुराय करपा खातीर राज्य पीएॅमयू आनी एॅसएॅनए हांका मार्गदर्शन करप आनी देखरेख दवरून तांचेकडेन लागीच्यान समन्वय साधप.

ii) एॅमओएॅफपीआय, राज्य आनी जिल्लो एॅजन्सीसच्या कार्याची क्षमताय निर्माण करपा खातीर प्रशिक्षण समिती आनी पीईसीचे विधीवत मान्यताये खातीर प्रस्ताव दवरप.

iii)राष्ट्रीय पोर्टलाचो आनी एॅमआयएॅसाचो विकास तशेंच पोर्टलाचेर वेळार माहिती उपलब्ध करपाची खात्री करप.

iv) फुडलो नियाळ घेवपा खातीर प्रशिक्षण समिती वरवीं राष्ट्रीय राज्य एॅजन्सी आनी जिल्लो संसाधनी व्यक्तीनीं मान्यताय दिल्ल्या प्रशिक्षण कॅलेंडरा प्रमाणें प्रशिक्षण दिवप.

v) राष्ट्रीय आनी राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थांक मजबूत करप.

vi) राष्ट्रीय पोर्टला वरवी एण्टरप्रायजीसांक वेळार सब्सिडीचें वितरण करप.

vii) राज्यां आनी हेर एँजन्सी वरवीं, एँमओएँफआय कडेन मान्यताये खातीर दाखल केल्लें डीपीआरचे मूल्यांकन करप.

viii) गटांक वेळार मुदल रक्कमेच्या आदाराची तरतूद करप.

ix) एँसएँनएँ कडल्यान ब्रँण्डींग आनी बाजारणी आराखडो वेळार सादर करप.

x) एँसपीएँमयू आनी जिल्लो संसाधनी व्यक्तिंची वेळार तयारी दवरप.

9.2.5 **नोडल बँक:** एँमओएँफपीआय वरवीं, बँके कडल्यान सुक्ष्म उद्येगांक सुरळीत सब्सिडीची सोय जातली हें खात्री करपा खातीर नोडल बँकेंची निवड करतले. नोडल बँकेंत सकयल दिल्ल्या कार्यांचो समावेश आसतलो.

i) मोख दवरिल्ल्या अर्जांचे मंजूरी खातीर बँके कडेन देखरेख दवरप आनी संबंद स्थापीत करप तशेंच वैयक्तिक सुक्ष्म उद्देगांक आनी गटांक वेळार सब्सिडी वितरीत करप.
ii) रीण दिल्ल्या बँकेच्या शाखेंत लाभार्थ्यांच्या बँक खात्यांत केंद्र आनी राज्य सरकारा कडल्यान सबसीडीची रक्कम हस्तांतरण करप.

9.3 **राज्य स्तरीय रचणूक**

9.3.1 राज्य स्तराचेर, राज्य स्तरीय मान्यताय समिती हे येवजणेचे अंमलबजावणेचे पर्यवेक्षण करतलें आनी येवजण नेमून दिल्ले राज्य पीएँमयू, स्टेट नॉडल एँजन्सी वरवीं चलयतलें. तपशील सकयल दिल्लो आसा.

9.3.2 **राज्य स्तरीय मान्यताय समिती:**

9.3.2.1 मुख्य सचीव वा तांचे नामनिर्देशीत व्यक्ती, राज्य स्तरीय मान्यताय समितीची अध्यक्षता करतले आनी सकयल दिल्ली बांदावळ आसतली/दिल्लो प्रबंध आसतलो.

**तकटो 4: एँसएँलएँसी बांदावळ/प्रबंध**

| | | |
|---|---|---|
| i | मुख्य सचीव | अध्यक्ष |
| ii | वित्त सचीव | वांगडी |
| iii | ऍसीऍस/पीआर सचीव/अन्न प्रक्रिया, कृषी /उद्देग धंदे, ऍमऍसऍमई, नुस्तें वेवसाय, पशु संवर्धन, कौशल्य विकास हांचें सचीव | वांगडी |
| iv | ऍसआरऍलऍम, मिशन संचालक | वांगडी |
| v | राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थेचे प्रतिनिधी | वांगडी |
| vi | संस्था- मूलभूत राज्य तंत्रीक संस्थांचो प्रतिनिधी | वांगडी |
| vii | नाबार्ड, ऍनऍसडीसी ऍसऍलबीसी, ऍनसीडीसी चे प्रतिनिधी | वांगडी |
| viii | राज्य सरकारा वरवीं नांव-निर्देशीत बँकींग /वित्त आनी बाजारणी /ब्रॅण्डिगांतलें तज्ञ | वांगडी |
| ix | राज्य नोडल अधिकारी | वांगडी सचीव |

9.3.2.2 राज्य सरकार, ऍसऍलऍसी वा डीऍलसीत खंयच्याय हेर वांगड्याक नियुक्त करूंक शकता.

9.3.2.3 सकयल दिल्लें मान्यताये खातीर राज्य स्तरीय मान्यताय समिती जबाबदार आसतली.

i) सर्वेक्षण/अभ्यास

ii) ऍसऍनए वरवीं दाखल केल्ली पीआयपी.

iii) राज्य आनी जिल्लो अधिकाऱ्यांच्यो क्षमताय निर्माण कार्यावळी.

iv) राज्य स्तरीय ऍजन्सी, उद्देगां खातीर प्रशिक्षण आनी कौशल्य विकास कॅलेंडर.

v) राज्य संस्थांक मजबूत करप.

vi) ऍमओऍफपीआयक शिफारस करपी गटां खातीर अनुदानाचो प्रस्ताव.

vii) सामान्य सुविधा, गटांक आनी बाजारणी वा ब्रॅण्डिंगाचे तरतूदी खातीर प्रस्ताव.

viii) गटांक मुदल रक्कम

ix) पीआयपींत आसपावीत आशिल्ल्या वेगवेगळया उपक्रमांचेर रु.10 लाख मेरेन प्रकल्प खर्च मंजूर करपाचो अधिकार ऍसऍलऍएसीक आसतलो.

9.3.2.3 वयर दिल्ले मान्यतायेंक सोडली जाल्यार, ऍसऍलएसी सकयल दिल्ले उपक्रम हातान घेवंक शकता.

i) येवजणेचे पुराय मोखी वांगडा येवजणे खातीर म्हयन्याची मोख लायनींत थारायात.

ii) पोर्टला वरवीं येवजणेच्या प्रगतीचेर लक्ष दवरात.

iii) हेर संबंदीत संस्था वांगडा ताळमेळाची खात्री करात.

iv) येवजणे अंतर्गत युनिट्स/ सीऍफसीच्या अनुदानाच्या निरिक्षणाची खात्री करात.

9.3.3 **राज्य नोडल खातें:** ह्या येवजणेच्या अंमलबजावणेचे पर्यवेक्षण करपा खातीर प्रत्येक राज्य सरकारान, सरकारी स्तराचेर एक नोडल खातें आनी राज्य नोडल अधिकाऱ्याची नेमणूक करची. सूक्ष्म आनी समूह स्तराचेर अन्न प्रक्रिया क्षेत्रांत सहभागी आशिल्ल्या राज्यांतल्या वेगवेगळया खात्या संबंदी मजबूती आनी अणभव लक्षांत घेवन नोडल खात्याची निवड करची. राज्य नोडल अधिकारी हो, सचीव वा संचालक /एचओडी ह्या श्रेणींतलो आसूंक जाय. कृषी वा फलोत्पादन खातें, अन्न प्रक्रिया खातें, उद्देग खातें, ऍमऍसऍमई खातें, ग्रामीण विकास खातें संभाव्य नोडल खातीं आसूंक शकता.

9.3.4 **राज्य नोडल एजन्सी:** प्रत्येक राज्यांत एक राज्य नोडल ऍजन्सी नेमूंक जाय.

राज्य नोडल ऍजन्सी(ऍसऍनए)ही, एक संचालनालय वा मिशन वा राज्य सरकाराची संस्था आसूंक शकता. ह्या येवजणेच्या अंमलबजावणी खातीर राज्य स्तराचेर आशिल्ली ऍसऍनऍ ही प्रचलीत एजन्सी आसतली. ऍसऍनऍची भुमिका आनी जापसालदारक्यो सकयल दिल्ले प्रमाणें आसतलीः

i) वेगवेगळो अभ्यास आयोजीत करप;

ii) पीआयपी तयार करून घेवप;

iii) राज्य स्तरीय तंत्रीकी संस्था आनी जिल्लो संसाधनी व्यक्ती हांच्या वरवी हातान घेतिल्ले प्रशिक्षण आनी क्षमताय निर्माण कार्यावळीची देखरेख करप

iv) राज्य स्तरीय तंत्रिकी संस्था मजबूत करप;

v) जिल्लो समिती वरवीं सब्सिडीचो प्रस्ताव वेळार दाखल करपाची खात्री करप;

vi) सामान्य सुविधाच्या तरतूदी खातीर तयार केल्लो आराखडो वेळार दाखल करपाची खात्री करप;

vii) गटांच्या मुदल रक्कमेचो प्रस्ताव वेळार दाखल करपाची खात्री करप;

viii) ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी प्रस्तावाचो विकास करप;

ix) डीपीआरऍस खातीर जिल्लो संसाधनी व्यक्ती वरवीं एण्टरप्रायसीसांक दिवपाच्या निधी सहाय्याची देखरेख करप;

x) एसपीऍमयूची स्थापना करप;

xi) जिल्लो संसाधनी व्यक्तिच्या नियुक्तीचेर देखरेक दवरप आनी मान्यताय दिवप;

xii) ऍमओऍफपीआयक नियमीत प्रगती अहवाल आनी उपेगन प्रमाणपत्र (यूसी) विहीत नमून्यांत दाखल करप ;

xiii) आयईसी;

xiv) बऱ्या आचरणाची माहिती करून दिवप;

9.3.5 **राज्य प्रकल्प वेवस्थापन युनीट (ऍसपीऍमयू):** राज्य नोडल एजन्सीन राज्य प्रकल्प वेवस्थापन युनिटाची (ऍसपीऍमयू) नियुक्ति करची. ऍसपीऍमयूच्या कंत्राटी पध्दतीचेर वा प्रतिनियुक्तिचेर वा ऍसऍनऍच्या स्वताच्या कर्मचाऱ्यांची नेमणूक करून कर्मचारी

नियुक्त करूंक शकता. येवजणेच्या कामा खातीर ऍसपीऍमयूचे कर्मचाऱ्याची पुराय वेळ कामार नेमणूक करची. ऍसऍनऍच्या  स्पर्धात्मक गिरायक प्रक्रिये वरवीं ऍसपीऍमयू म्हूण एकाद्र्या खासगी एजन्सीची  नेमणूक करूंक निर्णय घेवंक शकता.

**9.3.6** प्रशासकीय खर्च म्हूण ऍसऍनऍक, येवजणेच्या खर्चाचे 2% दितले. येवजणें अंतर्गत

2% प्रशासकीय खर्चांतल्यान ऍसऍनऍ वरवीं ऍसपीऍयूचो खर्च करतले.

पात्रताये सयत ऍसपीऍमयूच्या कर्मचाऱ्याचो तपशील निर्धारीत केल्ले प्रमाणें आसतलो.

**9.3.6.1** परिच्छेद 3.3.6 त दाखयल्ल्या प्रमाणें, सगळया कार्यांत ऍसऍनऍक

फाटबळ दिवपाची ऍसपीऍमयूची मुख्य जबाबदारी आसतली.

**9.3.7 जिल्लो स्तरीय बांदावळ**

**9.3.7.1 जिल्लो स्तरीय समिती:** जिल्लो स्तराचेर, जिल्लोधिकाऱ्याच्या अध्यक्षते खाला, जिल्लो स्तरीय समिती (डीऍलसी) स्थापीत करतले. पंचायती, बॅंक, विशय तज्ञ, शिक्षणीक संस्थां, सामुदायीक संस्थां, एफपीओ/ऍसऍचजी आदी समिती प्रतिनिधीत्व करतल्यो. डीऍलसीचो वांगडी म्हूण  जिल्लोधिकारी हेर खंयच्याय व्यक्तिची निवड करूंक शकता. जिल्लो स्तरीय समितीची बांदावळ सकयल दिल्ले प्रमाणें आसतली.

**तकटो 5: डीऍलसीची रचणूक**

| | | |
|---|---|---|
| (i) | जिल्लोधिकारी | अध्यक्ष |
| (ii) | जीऍम, डीआयसी, जिल्लो कृषी अधिकारी, जिल्लो फलोत्पादन अधिकारी | वांगडी |
| (iii) | एके ग्रामपंचायतीचे (जीपी) सरपंच | वांगडी |
| (iv) | एक गट विकास अधिकारी | वांगडी |
| (v) | नेतृत्व करपी जिल्लो बॅंक वेवस्थापक | वांगडी |
| (vi) | ऍसऍचजी/ऍफपीओ प्रतिनिधी | वांगडी |
| (vii) | नाबार्डाचे प्रतिनिधी | वांगडी |

| | | |
|---|---|---|
| (viii) | ऍसआरऍलऍमचे जिल्लो प्रतिनिधी | वांगडी |
| (viii) | जिल्लोधिकाऱ्या वरवीं नेमिल्ली हेर खंयच्योय व्यक्तीं | वांगडी |

**9.3.7.2 सकयल दिल्ल्या प्रकरणां खातीर डीऍलसी जबाबदार आसतली:**

i) एकाद्र्या लघू उद्देगांक रीण आनी सब्सिडी खातीर अर्ज मजूंर करप;

ii) ऍसऍनएँ कडेन सामान्य साधन-सुविधां आनी गटां खातीर अर्जाची शिफारस करप;

iii) जिल्लो संसाधनी व्यक्ती वरवीं लघू उद्देगांक दिवपाच्या निधी सहाय्याची देखरेख करप;

iv) पोर्टल आनी प्रभावकारी डॅशबोर्ड देखरेखी वरवीं येवजणेचे प्रगतीची देखरेख करप;

v) सगळया संबंदीत संस्थां वांगडा ताळमेळाची खात्री करप.

**9.3.8 जिल्लो संसाधनी व्यक्तीं**

9.3.8.1 जिल्लो /प्रादेशीक पांवड्यार, लाभार्थ्यांक हॅण्डहोल्डींग पुरवण करूंक ऍसऍनएँ वरवीं संसाधनी व्यक्तींची नेमणूक करूंक जाय.

9.3.8.2 **संसाधनी व्यक्तींक सकयल दिल्ली पात्रताय आसूंक जाय:**

i) प्रतिश्ठीत राष्ट्रीय/आंतराष्ट्रीय विद्यापीठांतल्यान/संस्थेंतल्यान अन्न तंत्रगिज्ञानांत / अन्न अभियांत्रिकींत पदविका/पदवी

ii) अन्न प्रक्रिया उद्देगांत तंत्रगिज्ञानांत सुदारणां करूंक, नवीन उत्पादाचो विकास, गुणवत्तेची हमी, अन्न सुरक्षा वेवस्थापना खातीर सल्लो मसलतीची सेवा दिवंक 3-5 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय;

iii) अन्न तंत्रगिन्यानांत जर पात्र व्यक्ती उपलब्ध नासल्यार, अन्न प्रक्रिया उद्देगांत,

बँकिंगांत, डीपीआर तयारी आनी प्रशिक्षणांत अणभव आशिल्ल्या व्यक्तींची नेमणूक करूंक शकता.

9.3.8.3 संसाधनी व्यक्तींनी, डीपीआरची तयारी करपा खातीर स्वतंत्र युनिटांक आनी गटांक, बँके कडल्यान रिण घेवंक, ऍफऍसऍसआयच्या खाद्य मानक, उद्योग आधार, जीऍसटी आदी खातीर आवश्यक नोंदणी आनी परवानो मेळोवपा खातीर निधी सहाय्याची पुरवण करूंक जाय.

9.3.8.4 प्रत्येक लाभार्थ्याक उपलब्ध केल्ल्या मजतीच्या आदाराचेर संसाधनी व्यक्तिंची फारीकणी, बँके वतीन लाभार्थ्याक रीण मंजूर जाल्या उपरांत करतलें. प्रत्येक संसाधनी व्यक्तीक, रीण मंजूर जाल्ले दर एके बँके प्रमाणें रू. 20,000/- ह्या दरान फारीकणी जातली. 50% फारीकणी बँके कडल्यान रिण मंजूर जाल्या उपरांत दितले आनी उरिल्ले 50% फारिकणी, उद्देग युनिटाक जीऍसटी तशेंच उद्योग आधार नोदंणी मेळळया उपरांत, ऍफऍसऍसऍआयचया प्रमाणाचें अनुपालन केल्या उपरांत, प्रकल्पाची अंमलबजावणी आनी प्रशिक्षण दिल्या उपरांत दितलें.

9.3.9 राज्य नोडल विभागांत येवपी अर्जांचेर आनी अर्जाचे मान्यताय प्रक्रियेचेर निर्णय घेवंक जाय आनी येवजणे अंतर्गत मजत करूंक जाय. सकयल दिल्ल्या मुद्यां खातीर डीऍलसी, ऍसऍनऍ आनी राज्य स्तरीय तंत्रिकी संस्थां हांच्या संबंदीत भुमिके विशीं तांणी निर्णय घेवंक जाय:-

(i) एकाद्र्या अर्जाची निवड करपा खातीर मान्यताय;

(ii) राज्य पांवड्यार गटांचे अर्ज आनी सामान्य साधन-सुविधा;

(iii) प्रशिक्षण आनी क्षमताय निमार्ण करपाची कार्यां आनी डीऍलसी, ऍसऍनऍ आनी राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थां मजगती निर्णय घेवप;

(iv) राज्या भितर येवपी अर्ज आनी आदार प्रक्रिये विशींचो निर्णय, मार्गदर्शक सुचोवण्यांनी उल्लेख केल्ले एजन्सीचे भुमिके कडेन आसल्यारूय लागू जातलो.

9.3.10 **अभिसरणा खातीर भागिदारी संस्थां**

**9.3.10.1** ही येवजण अनुसुचीत जाती /जमाती, महिला आनी म्हत्वकांक्षी जिल्ले आनी ऍफपीओऍस /ऍसऍचजीऍस आनी सहकारी उत्पादक हांचेर विशेश लक्ष दिला.

सकयल दिल्ल्यो संस्थां ह्या क्षेत्रांत कार्य करीत आसा:

a) टीआरआयऍफईडी (TRIFED);
b) राष्ट्रीय अनुसूचीत जाती विकास वित्त म्हामंडळ;
c) राष्ट्रीय सहकारी विकास म्हामंडळ;
d) लघू शेतकार कृषी – वेवसाय संघटणा;
e) ग्रामीण विकास मंत्रालया अंतर्गत राष्ट्रीय ग्रामीण उपजिविका मिशन.

**9.3.10.2** वयर दिल्ल्यो संस्थां अनुक्रमान युनीट/ ऍसटीऍस,ऍससीऍसचो समूह, सहकारी, ऍफपीओऍस आनी ऍसऍचजी वळख पटोवन सुविधा वरवीं तांचे कार्य बदलूंक शकता. अश्या संस्थांच्या निधी खातीर आनी विकासाखातीर डिपीआर आनी प्रस्ताव तयार करूंक सुरवातीचें हॅण्डहोल्डींग दिवंक जाय आनी अश्या प्रकारचें प्रस्ताव राज्याच्या पीआयपीक दिवंक जाय. तांच्यानी अश्या समर्थीत युनिट्सांक आदारूय दिवंक जाय आनी ह्या प्रयासा खातीर राज्या वांगडा काम करूंक जाय. प्रत्येक भागीदारी संस्था पीईसीचो वांगडी आसतली.

**10. अभ्यास आनी अहवाल**

**10.1 राज्य पांवड्यार अद्यावतीकरण आराखडो (ऍसऍलयूपी):** ऍसऍनऍन राज्य पांवड्यार अपग्रेडेशन आराखडो (ऍसऍलयूपी) तयार करूंक जाय जातूंत सकयल दिल्ल्या दोन घटकांचो समावेश आसतलों:

10.1.1 **बेस- लायन निर्धारण:** बेस-लायन अभ्यासान ओडीओपी वळखूपाचेर भर दिवंक जाय.

प्रत्येक राज्यांत हो अभ्यास 31 जुलय मेरेन आसपावीत करूंक जाय. ह्या अभ्यासा खातीर, राज्यांक रु. 2 - 5 ते 10 लाख मेरेन दितले.

**10.1.2 राज्य स्तरीय अद्यावतीकरण येवजण:** ओडीओपीचेर एकदा निर्णय घेतल्या

उपरांत, जिल्ल्यात त्या उत्पादाची प्रक्रिया करपी उद्योगांची संख्या, शेती पांवड्यार प्रचालन, वट्ट आवाठ आनी उत्पादाचे मोल , तंत्रिकी, शेती पांवड्यार प्रक्रिया, सांठो, गुदांव, प्रक्रिया युनिट्साची संख्या तांचो तपशील आदी दिता आसतना राज्यात हांचो सविस्तर अभ्यास करूंक जाय. हो अभ्यासक्रम 31 डिसेंबर, 2020 मेरेन आयोजीत करूंक जाय. राज्याक वयल्या अभ्यासक्रमा खातीर 10.0 – 75.0 लाख मेरेन रक्कम दितले. वयल्या अभ्यासाच्यो संदर्भ अटी (टीओआर) विहीत केल्ल्या प्रमाणें आसतल्यो.

10.2 **ऍफपीओ/उत्पादक सहकारी /ऍसऍचजीचो अभ्यास:** वयल्या अभ्यासाच्या समातंर ऍसऍनऍन ऍनसीडीसी, ऍसऍफऍसी, टीआरआयऍफईडी, ऍनऍससीऍफडीसी आनी ऍसआरऍलऍमऍस हांच्या समन्वयान राज्यांतली ऍसऍचजी, उत्पादकांची सहकारी संस्था, ऍफपीओच्या कामाची माहिती एकठांय करूंक जाय.

10.3 राज्य पांवड्यार अद्यावतीकरण प्लानांत विचार केल्ल्या साधन-सुविधा आनी हेर सुविधांचें अभ्यासकार्य पुराय जाल्या उपरांत, अश्या जिल्ल्यांनी, ओडीओपी खातीर फुडले कारवायेच्या हेतून अन्य अभ्यास राबोवंक जाय. ऍसऍनऍ वरवी हेर खंयचोय अभ्यासक्रम आयोजीत करूंक प्रकल्प अंमलबजावणी आराखड्याच्या अभ्यासा खातीर प्रस्तावाचो समावेश करूंक जाय आनी खर्चाच्या अदमासा वांगडा ऍमओऍफपीआयक मान्यताये खातीर धाडूंक जाय.

11.0 **प्रकल्प अंमलबजावणी येवजण (पीआयपी)**

11.1 प्रत्येक राज्याक पुराय वर्सा खातीर फाटल्या वर्साच्या जानेवारी म्हयन्यांत एक पीआयपी तयार करूंक जाय आनी त्या वर्साच्या 31 जानेवारी मेरेन ऍमओऍफपीआय कडेन मान्यताये खातीर धाडूंक जाय. पीआयपीक मान्यताये खातीर आंतर मंत्रालय उच्चाधिकार समिती (इंटर मिनिस्टेरीयल एमपावर्ड कमिटी) मुखार दवरूंक जाय. राज्य स्तरीय मान्यताय समितीन ऍमओऍफआय कडेन पीआयपीची शिफारस करूंक जाय. ऍमओपीआयन फाटल्या अर्थीक वर्सात 31 मार्च मेरेन पीआयपीक मान्यताय दिवंक जाय. 2020- 21 वर्सांत, 30 सप्टेंबर 2020 मेरेन राज्यां वरवीं पीआयपी, मान्यताये खातीर ऍमओऍफपीआय कडेन धाडूंक जाय.

11.2 पीआयपीत सकयल दिल्लो तपशील आसूंक जाय :-

i) राज्यांत नियुक्त केल्ल्या एजन्सींक तशेंच वेचून काडिल्ल्या संस्था हांच्या सयत राज्यांत कार्यावळीं खातीर अंमलबजावणेची वेवस्था;

ii) नियुक्त केल्ल्या अधिकाऱ्यां वांगडा राज्य नोडल एजन्सीचो तपशील;

iii) ऍसऍलऍसी/डीऍलसीची रचणूक;

iv) ऍसपीऍमयूची आनी मनीसबळ स्थापीत करूंक तपशील आनी येवजण;

v)जिल्लो संसाधनी व्यक्तींक सेवेंत घेवंक तपशील आनी येवजण;

vi)राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थेचो तपशील;

vii) येवजणेच्या मार्गदर्शक सुचोवण्या प्रमाणें वर्सा खातीर नियोजीत केल्ली कार्या;

a) नियोजीत अभ्यासाचो तपशील आनी अभ्यास पुराय करपा खातीर दिल्ली वेळ मर्यादा;
b) वेग वेगळया संस्थां खातीर स्पश्ट भुमिके वांगडा मॅट्रीक्स वर्सा खातीर नियोजीत प्रशिक्षणाचो तपशील;
c) संवितरण सब्सिडी खातीर मंडळाचें लक्ष आनी ऍण्टरप्रायजीस, बूथ गट आनी व्यक्तिंची संख्या;
d) जिल्ल्या संदर्भांत समुहाची वितरायल्ली वळेरी;
e) कार्यक्रमांत क्षमताय जाळवणदार म्हूण वळखुपी, राज्यांतल्या ऍसऍचजी / ऍफपीओ सहकारी संस्थांची वळेरी करप ;
f) उत्पादां खातीर ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी येवजण सारांश.

viii) वर्सा खातीर सगळया कार्याच्या तपशीला सयत अदमास आनी अर्थसंकल्प;

ix) नियोजीत केल्ल्या कार्याच्या अंमलबजावणेचो तपशीला सयत फ्लो चार्ट;

**x) प्रत्येक व्यक्ती खातीर निश्चीत केल्ली स्पश्ट भुमिका आनी जापसालदारके सयत भागधारक मॅट्रीक्स.**

11.3 पीआयपी ही नियोजन आनी अर्थसंकल्पी येवजण आसा. पीआयपीच्या मान्यताये उपरांत राज्याक दिल्ल्या अधिकार प्रतिनिधीच्या अधीन आशिल्ल्या विशय वस्तू खातीर राज्यांनी खर्च करूंक जाय.

11.4 राज्य स्तरीय मान्यताय समितीक वैयक्तीक वस्तू खातीर रु.10 लाख मेरेनच्या खर्चा खातीर मान्यताय दिवंक अधिकार दिल्लो आसा. आनी रु.10 लाखा परस चड खर्चा

खातीर खंयचोय प्रस्ताव आसल्यार ऍमओपीआयक मान्यताये खातीर धाडूंक जाय. तातूंत रु.10 लाखा परस चड अनुदान आशिल्ल्या प्रकल्पां खातीर डीपीआर, राज्य स्तरीय तंत्रीक संस्थेचेर खर्च जो रु.10 लाखा परस चड आसल्यार आदिचो समावेश आसतलो.

11.5 ऍनआयऍफटीईऍम आनी आयआयऍफपीटीचे स्थिती प्रमाणें, पीआयपीच्या मान्यताये उपरांत रु. 10 लाखा परसच्या खर्चा खातीर संघटणेच्या अधीन आशिल्ल्या विद्यमान अधिकारांचे उपेग करूंक जाय. 10 लाखापरस चड खर्च करपाचो खंयचोय प्रस्ताव आसल्यार विशिश्ट प्रस्ताव म्हूण मान्यताये खातीर ऍमओऍफपीआय कडेन धाडूंक जाय.

## 12.0 **निधींचें संवितरण**

12.1 केंद्रान पुरस्कृत केल्ली ही एक येवजण आसा जातूंत केंद्र आनी राज्यां मदल्या संसाधनाचीं विभागणी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसा.

i) केंद्र- राज्या भितर 60-40 चो वांटो;केंद्र तशेंच हिमालयीन आनी उत्तर पुर्वी राज्यां मदी 90:10 अश्या प्रमाणान विभागणी;

ii) विधीमंडळ आशिल्ल्या केंद्र शासीत प्रदेशांक केंद्र आनी राज्यां मदी (यूटीऍस) 60: 40 विभागणी आसतली

iv) विधीमंडळा शिवाय केंद्र शासीत प्रदेशांक (यूटीऍस) केंद्र सरकारा वरवीं 100% निधी दिवंक जाय.

12.2 केंद्र सरकार सकयल दिल्ल्या घटकांची 100% पुर्तता करतलो:

i) क्षमताय निर्माण आनी प्रशिक्षण;

ii) ऍमओऍफपीआय खातीर राष्ट्रीय पीऍमयूचो प्रशासकीय खर्च;

iii) राष्ट्रीय पांवड्यार ओडीयो- व्हिजूअलाचे टर्म, प्रिंट मटेरियलाचो विकास, मॉड्युल्साचो विकास आदींच्या संदर्भान प्रशिक्षणाचो आदार.

iv) ऍमआयऍस.

v) तंत्रतज्ञान, उत्पादनां आदीचो विकास;

vi) राष्ट्रीय पांवड्यावयल्या भागीदारी संस्थाक फाटबळ;

vii) राष्ट्रीय पांवड्यावयल्या विकासा खातीर फाटबळ;

viii) भारत सरकारान केल्लो हेर खंयचोय थेट खर्च 100% ऍमओऍफपीआय वरवीं करतलें.

12.3 पयल्या वर्सा, केंद्र आनी राज्यांनी केल्लो 100% खर्च भारत सरकारा वरवीं करतलें. राज्याचो अर्थसंकल्प मंजूर जाल्या उपरांत ही येवजण सूरू केल्ली आसल्या कारणान अशे केला. ताका लागून, पुरक अदमासपत्र मंजूर जाल्या उपरांतूच राज्य निधी दिवंक सक्षम जावंक शकता. पयल्या वर्सांत केल्लो खर्च 60:40 च्या प्रमाणांत जुळोवन फुडल्या चार वर्सांक राज्यांक समान निधी हस्तातरण करतलें.

12.4 मंजूर केल्लो निधी पीआयपीच्या आदाराचेर पयली जाहीर केल्ल्या निधी शिवाय हस्यांची उपेगन प्रमाणपत्रां (यूसी) दिल्या उपरांत राज्यांत हो निधी वर्साक दोन हस्यांनी दितले, वर्स 2020-21त हस्तांतरण जाल्ल्या निधी खातीर अशे तरेच्या उपेगन प्रमाणपत्राची आवश्यकता ना.

12.5 पीऍमयू अभ्यास, प्रशिक्षण हांच्या खातीर प्रशासकीय खर्च भागोवपा खातीर राज्यांक 2020-21 च्या दुसऱ्या तिसऱ्या तिमाईत अनुदान दितलें. त्याउपरांत, पीआयपीचे मान्यताये उपरांत राज्यांक 2020-21 च्या पुराय वर्सा खातीर एकाच हस्यान निधी दितले.

12.7 **अनुसुचीत जाती (ऍससी) अनुसुचीत जमाती (ऍसटी) उत्तर पूर्व प्रांता (ऍनईआर) खातीर वाटणी.**

12.7.1 ह्या येवजणे अंतर्गत ऍससी/ऍसटी आनी ऍनईआरांक खातीर विशिश्ट तरतूद करतलें. हो निधी, राज्यांतल्या अनुसुचीत जाती /असुचीत जमातीच्या लोकसंख्येचेर आदारून राज्यांक निधीचे वाटप करतलें. ह्या येवजणेच्या अंतर्गत अश्या प्रकारच्या अनुसुचीत जाती/अनुसुचीत जमातीच्या वाटणीचो उपेग फकत अनुक्रमान अनुसुचूत जाती

/अनुसुचीत जमातीच्या स्वताच्या युनिट्साच्या हिता खातीर करूंक शकता. गटा विशीं, अश्या गटांतले 50% परस चड वांगडी ऍससी/ऍसटी समुदायांतलें आसल्यार अशा निधीचो उपेग करूंक शकता. उत्तर पूर्व राज्यां विशीं, ह्या येवजणे अंतर्गत, अश्या राज्यांनी ह्या निधीचो उपेग करूंक निकशांचे पालन करून वाटणी करतलें.

## 13.0 क्रॅडीट लिंकेजः

**13.1** येवजणे अंतर्गत मुख्य खर्च चडांत चड रू.10 लाखाच्या अधीन सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया ऍण्टरप्रायजिसा खातीर 35% चे दरीन क्रॅडीट लिंक अनुदान आसा. ताचे अतिरीक्त, क्रॅडीट लिंक अनुदान गटांच्या भांडवल गुंतवणुके खातीर 35%दरीन, सामान्य साधनसुविधे खातीर 35% दरीन दितात. बँके वरवीं रीण मंजूर केले उपरांत रीण दिवपी बँकेंत हें अनुदान ट्रान्सफर करतले.

**13.2** राष्ट्रीय पांवड्यार बँकांक सब्सिडी वितरण आनी बँकांच्या संपर्का खातीर नोडल बँकेची नियुक्ती करतले.

**13.3** रीण मंजूर करपी बँक लाभार्थ्याच्या नांवान "मिरर खातें" उगडटली.रीण दिवपी बँक रिणा संबंदीत तथ्यां राष्ट्रीय स्तरार नोडल बँकेक कळीत करतली. ही माहिती मेळळ्या उपरांत, केंद्र आनी राज्य सरकारान अनुदानाचो वांटो क्रमान 40% आनी 60% नोडल बँकेक ट्रान्सफर करूंक जाय. नोडल बँक केंद्राच्या अनुदानाचो 60% वांटो आनी राज्याचो 40% एकत्रीत वांटो संबंदीत रीण दिवपी बँकेच्या फाट्यांत ट्रान्सफर करतली. त्या बँक फांट्यान ही रक्कम लाभार्थ्याच्या "मिरर खात्यांत" दवरूंक जाय. रीण दिवपी बँकेन रीण म्हूण लाभार्थ्यांक/पुरवणदाराक सामान्य बँकींग पद्धती प्रमाणें मंजूर केल्ली रिणाची रक्कम आनी अनुदान रक्कम एकत्रीत दिवंक जाय.

13.4 जरी रिणाच्या निमाणी वांट्याच्या वितरणा उपरांत तीन वर्सांनी, लाभार्थ्यांचें खातें आजून मानक आसल्यार, आनी उद्देग आजून चालू आसल्यार, अनुदानाची ही रक्कम ताच्या बँक खात्यांत जमा करतले. जरी खातें, रीण दिल्ले तारखे सावन तीन वर्सां पयली ऍनपीए (NPA) जाता जाल्यार अनुदानीत रक्कम बँके वरवीं लाभार्थ्यान केल्ल्या फेरफारिकणीचेर जुळोवन घेतले. मानक खात्या संबंदीत अनुदानीत रक्कम तीन वर्सां उपरांत रिणाचे रकमेंत जुळोवन घेता जाल्यार, रिणकाऱ्या वरवीं रीण दिवपी बँकेन दिल्ली अनुदानीत रक्कम, प्राप्त तारखे सावन ताचे रकमे समान बँकेन दिल्ल्या रिणाच्या वांट्याचेर कळंतर फारीक करची ना.

**13.5** हे येवजणे अंतर्गत रिणकाऱ्यान क्रॅडीट गॅरण्टी कवरेजाचो लाव, दिल्ल्या रिणा खातीर राष्ट्रीय क्रॅडीट गॅरण्टी ट्रस्ट कम्पनी, आपल्या सामान्य नेम आनी अटींच्या माध्यमांतल्यान सूक्ष्म आनी लघू उद्येगां अंतर्गत दितले. ऍमऍसऍमई वृद्धिशील रीण कळंतर अर्थीक सहायता येवजण 2018 अंतर्गत रिणकाऱ्याक उरीत बाकीचेर 2% दरेन कळंतर अर्थीक सहाय्य उपलब्ध आसतलें.

**13.6** ऍसऍनएन (SNA) अर्ज म्हयन्याळें वा तिमाही आदाराचेर एकत्रीत धाडचे परस नेमान बँकांक धाडटले हाची खात्री करूंक जाय.

**13.7** हे अर्ज अर्जदाराच्या मूलभूत केव्हायसी (KYC) सयत बँकेच्या फाट्यांत धाडचे. प्रक्रियेचो कालावधी उणो करूंक, अर्ज / युनिट / यंत्रसामुग्री, नोंदणी आनी आवश्यक सरकारी परवानगी हेरां खातीर जमनीचें लीज / मालकीचीं कागदपत्रां हाचे सारकिल्ल्या रिणाच्या अर्जा खातीर आवश्यक आशिल्लीं सगळीं  कागदपत्रां आनी अर्ज बँकांक धाडूंक जाय. अर्जांत प्रकल्पाचे पुराय तपशील आसूंक जाय आनी वाठाराच्या अर्थीक वेव्हार्यतायेचेर डीपीआर (DPR) अनुरूप आसूंक जाय. प्रकल्प खर्च हो अर्थीक वेव्हार्यतायेच्या अनुरूप योग्य मूल्यांकनाच्या आदाराचेर आसूंक जाय.

## 14.0 ऍमआयऍस

**14.1** येवजणेचें परिक्षण आनी डेटाचो पुराय प्रवाह आनी प्रस्तावांची मान्यताय आनी हेर सगळें ऑनलाईन प्रणाली वरवीं जातलें. ह्या उद्देशा खातीर ऍमओऍफपीआय (MoFPI) वरवीं ऍमआयऍस विकसीत करतले. सकयल दिल्ली माहिती प्रवाह / मंजुरी, ऍमआयऍसाचेर जातलीः-

i) राज्यांनी धाडिल्ले पीआयपीचे प्रस्ताव आनी ऍमओऍफपीआयन केल्ल्या कसल्याय बदलां सयत तांची मंजुरी;

ii) राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या प्रशिक्षण संस्थां वरवीं पीआयपीक धाडिल्ले प्रस्ताव आनी कसल्याय बदलां सयत तांच्या मंजुरीचो प्रस्ताव;

iii) वैयक्तीक पांवड्यार सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया ऍण्टरप्रायजिसा वरवीं सादर केल्लो रिणा खातीर अर्ज;

iv) डीपीआर अपलोड करप आनी सल्लो-निधी सहाय्याचो (हॅण्डहोल्डींग) तपशील दिवप;

v) वैयक्तीक युनिटांक दिल्ल्या प्रशिक्षण सहाय्याचो तपशील;

vi) बँकांक रिणाचो प्रस्ताव धाडप;

vii) बँकेन मंजूर केल्ल्या रिणाचे तपशील अपलोड करप;

viii) समुहां सयत खंयचेय व्यक्तीक वा एजन्सीक केल्ली कसलीय फारीकणी आनी खात्यांची देखरेख;

ix) प्रशिक्षण सल्लो-निधी सहाय्या (हॅण्डहोल्डींग) बाबतींत समूह आनी व्यक्तींक दिल्ली कसलीय सहायता;

x) येवजणे अंतर्गत वेंचिल्ली दरेकी व्यक्ती आनी समुहा खातीर एक खातेवही आसची. हे खातेवहींत, वैयक्तीक आनी समुहाक दिल्ल्या सगळ्या सहायतेचो तपशील, तांच्या अर्थीक कार्यांचो तपशील, रिणाचें वितरण आनी हेरांचो तपशील आसूंक जाय;

xi) येवजणे अंतर्गत ऍसऍनए / ऍमओऍफपीआयन खंयच्याय ऍण्टिटीक केल्ले फारीकणेची नोंद ऍमआयऍसांत आसूंक जाय. हे येवजणे अंतर्गत राबयल्ल्या सगळ्या उपक्रमांचो आसपाव ऍमआयऍसांत आसूंक जाय;

xii) ऍमओऍफपीआय अंतर्गत ऍमआयएस विकसीत करतलो. तातूंत विकास, देखरेख आनी परिक्षणा खातीर सगळो खर्च येवजणे अंतर्गत ऍमओऍफपीआय वरवीं करतले.

## 15.0 विशेशज्ञ संस्थांची वळेरी

**15.1** सरकारी आनी खासगी अश्या दोनांनीय बाजारणी, संशोधन, उत्पादन विकास, पॅकेजिंग, ब्रॅण्डींग, प्रशिक्षण, हॅण्डहोल्डींग सपोर्ट आनी हेर क्षेत्रांनी विशेशज्ञ आशिल्ल्यो संस्था अस्तित्त्वांत आसात. ह्या दरेकी कामां खातीर, MOFPI राष्ट्रीय पांवड्या वयले संस्थांची वळेरी तयार करतले, जांच्या सेवांचो राज्यां वरवीं वापर करूं येता. वळेरी तयार करपाचें हें कार्य क्षेत्रांतल्या तज्ञांच्या मूल्यांकना खातीर पारदर्शक प्रक्रिये वरवीं करतले. हे वळेरीच्या संस्थां वरवीं जें काम करतले त्या कार्या खातीर अर्थीक प्रस्तावांक मागयल्या उपरांत राज्यां वरवीं तांकां काम दिवंक जाय.

## 16.0 अभिसरण संरचना

**16.1** सकयल दिल्ल्या सरकारी येवजण्यां खाला, येवजणे अंतर्गत सहायता प्राप्त जाल्ली अन्न प्रक्रिया ऍण्टरप्रायजीस, लाव घेवपा खातीर पात्र आसतले:

i) राष्ट्रीय ग्रामीण उपजिविका मिशन – आप मजत गटांक (SHGs) मुदल रक्कम, प्रशिक्षण आनी कळंतर सल्लो-निधी सहायता (हॅण्डहोल्डींग सपोर्ट) दिवप;

ii) स्टार्ट-अप ग्रामीण उद्देजीकताय कार्यावळ (SVEP) - ही एक केंद्र पुरस्कृत येवजण आनी ऍनआरऍलऍमचो ताचो एक भाग आसा, हातूंत 12% कळंतर दरेन वैयक्तीक उद्देजगां खातीर रीण म्हूण 1 लाख रुपया आनी उद्देग समुहांक 5 लाख रुपया मेरेन सामुदायीक उद्देग निधी (सीईऍफ) च्या माध्यमांतल्यान ग्रामीण स्टार्ट-अप प्रशिक्षण, सल्लो-निधी आनी सहायता वरवीं भांडवल आनी तांत्रिकी सहायता दितात.

iii) ऍमऍसऍमई 2018 क वृद्धिशील रिणा खातीर कळंतर निधी सहायता येवजण - थकबाकी वयली 2% कळंतर निधी सहायता;

iv) 2 कोटी रुपया मेरेनच्या अनुशंगीक (collateral) नि:शुल्क रिणाच्या हेतून सूक्ष्म आनी लघू ऍण्टरप्रायजीसा खातीर क्रॅडीट गॅरण्टी ट्रस्ट फण्ड (सीजीटीऍमऍसई);

v) 10 लाखां मेरेनच्या रिणा खातीर प्रधानमंत्री मुद्रा योजना;

vi) नवे उपक्रम, ग्रामीण उद्देग आनी उद्देजीकताय हांकां प्रोत्साहन दिवपा खातीर येवजण (एऍसपीआयआरई);

vii) ग्रामीण उद्देग पुनरूत्पादन निधी येवजण (ऍसऍफयूआरटीआय);

viii) ऍमऍसई खातीर भौशीक अधिप्राप्ती धोरण;

ix) चोंबो/गटांक सहायता उपलब्ध करून दिवपा खातीर ऍमओपीपीआयच्या हेर येवजण्यांनी उपलब्ध आशिल्ले लाव जशे, फाटलें आनी फुडलें संयोजन, कृषी उत्पादन क्लस्टर, कोल्ड चैन आनी हेरां अंतर्गत लाभाचो वापर करतले.

x) जर मार्गदर्शक तत्त्वां अंतर्गत येता जाल्यार आप मजत (SHGs) गटांक कौशल्य प्रशिक्षण दिवंक पीऍमकेव्हीवाय आनी ऍनआरऍलऍम कडल्यान सहकार्य घेतले. उण्या कालावधींतल्या सायट ट्रेनिंगाच्या उद्देशान गरजे प्रमाणें तयार केल्ले ऍनआरऍलऍम आनी पीऍम ऍफऍमई येवजणे कडल्यान सहायता दितले.

| ENGLISH | KONKANI |
|---|---|
| MINISTRY OF FOOD PROCESSING INDUSTRIES, GOVERNMENT OF INDIA | अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय भारत सरकार |
| COLD STORAGE | कोल्ड सांठो |
| TRANSPORTATION | येरादारी |
| COMMON FACILITIES GRADING AND SORTING | सामान्य सुविधा ग्रेडींग आनी सॉर्टिंग (वर्गीकरण) |
| SUPPORT TO | सहायता दिवप |

| | |
|---|---|
| FOOD PROCESSING UNITS UPGRADATION OF PROCESSING UNITS CREATION OF COMMON INFRA | अन्न प्रक्रिया युनिटांचे प्रक्रिया युनिट्स निर्मीत सामान्य साधनसुविधांचो विस्तार |
| PRODUCTS | उत्पादनां |
| PROCESSING | प्रक्रिया |
| BRANDING & MARKETING | ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी |
| PACKAGING & LABELLING | पॅकेजींग आनी लेबलींग |
| CAPACITY BUILDING & RESEARCH | क्षमता निर्माण आनी संशोधन |
| SCHEME FOR FORMALIZATION OF MICRO FOOD PROCESSING ENTERPRISES(FME) | सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया एॅण्टरप्रायजीसांचें उपचारिकरण करपाची येवजण |

## 12.05.2020 दिसा प्रधान मंत्रीन देशाक केल्लें संबोधन– आत्मनिर्भर भारत

सगळया नागरिकांक परबीं, फाटल्या चार म्हयन्यां सावन वैश्वीक समुदाय कोरोना विशाणू आड झूज दित आसात.

ह्या कालावधींत संवसारभरांतले 42 लाखा परस चड लोक कोरोनाक लागून बादीत जाल्यात. दुर्दैवान 2.75 लाखा परस चड लोक मेल्यात. भारतांतूय, लोकांनी आपले लागशिल्ले आनी मायेचे लोक व्हगडायल्यात. हांव सगळयांक काळजाथावन भुजवण दितां.

इश्टांनो, ह्या विशाणून संवसाराक नश्ट केला. संवसारांत कोट्यांनी लोक संकश्टाक तोंड दित आसात. मोलादीक जीव वाटावपाक पुराय संवसार वावुरता. आयज मेरेन आमी असलें संकश्ट केन्नाच पळोवंक वा आयकूंक नासलें. हें संकट मनीसकुळा खातीर असंभवनीय तशेंच अभूतपूर्व आसा.

पूण, निराशी जावप, अवसान गळोवप वा अस्वस्थ जावप, हें मनीसकुळाक स्विकार्य ना. आमी सतर्क रावून, ताचें बारकायेन निरीक्षण करून, असल्या झुजांत नेमांचें पालन करून, स्वताचो जीव वाटावन मुखार सरुया. संवसार संकश्टांत आसतना, आमचो संकल्प घटमूट करुया. आमचो संकल्पूच ह्या संकश्टांतल्यान भायर सरपाक मजत करतलो.

इश्टांनो, आमी फाटल्या शेंकड्या सावन आयकत आयल्यात, 21 वो शेंकडो हो भारताचो शेंकडो आसतलो. वैश्वीक प्रणाली आनी कोरोना पयलीं संवसार कसो आसलो तो आमी बारीकसाणीन नियाळून पळयला.कोरोना संकश्टाचो आघात संवसारभर पातळ्ळा आनी ही परिस्थिती सेगीत पळयत आसात. ह्या दोनूय काळांक भारताच्या दृश्टीकोणांतल्यान पळयल्यार, 21 वो शेंकडो हो भारताचोच असो दिसता. हें आमचें सपन न्हय, तर आमची सगळयांची जापसालदारकी आसा.

पूण ताचो मार्ग कसो आसूंक जाय?

संवसारांतली सध्याची स्थिती (आत्मनिर्भर भारत) " सॅल्फ रिलायण्ट इंण्डिया" हो एकूच मार्ग अशेंच आमकां शिकयता. आमच्या धर्मग्रंथांनी लेगीत तेंच म्हणलां ईशाः पंथा; म्हणल्यार- आत्मनिर्भर भारत.

इश्टांनो,

एक राष्ट्र म्हूण आयज आमी एका निर्णायक टप्प्यार उबे आसात. येदी व्हडली आपत्ती हो भारता खातीर एक संकेत आसा, ताणें एक संदेश आनी संद हाडल्या. हांव देखी सयत म्हजो दृश्टीकोण तुमच्या मुखार मांडटां. जेन्ना कोरोना सुरू जाल्लो तेन्ना भारतांत एक लेगीत पीपीई कीट तयार करूंक नासलें. भारतातंत N-95 मास्क थोड्या प्रमाणांत तयार जाल्ले. आयज स्थिती अशी आसा की, आमी आयज दिसपट्टे 2 लाख पीपीई (PPE) आनी 2 लाख N-95 मास्क तयार करूंक शकतात.आमी हें करपाक समर्थ आसात कारण, भारतान ह्या संकश्टाचें रुपांतर, एक संद म्हूण केल्या.

संकश्टाक संदींत रुपांतरीत करपी - भारताची ही दूरदृश्टी – आत्मनिर्भर भारताच्या संकल्पांत तितलीच प्रभावी सिद्ध जातली.

इश्टांनो,

आयज वैश्वीक परिदृश्यांत आत्मनिर्भर ह्या उतराचो अर्थ बदल्ला.मानव केंद्रीत जागतिकीकरणा आड अर्थवेवस्था केंद्रीकृत जागतिकीकरण हाचेर भासाभास सुरू जाल्या. भारताची मूळभूत विचारसरणी संवसाराक एक आशेचें कीर्ण दाखयता. भारताची संस्कृती आनी परंपरा आत्मनिर्भरते विशीं उलयता जाचो आत्मा आसा तो म्हणल्यार वसुधैवकुटुंबकम.
जेन्ना आत्मनिर्भरतायेची गजाल येता, तेन्ना भारत आत्मकेंद्रीत वेवस्थेचें समर्थन करिना. भारताची आत्मनिर्भरता संवसाराची खोशी, सहकार्य आनी शांतींत गुंतल्या.

हीच ती संस्कृती जी संवसाराच्या कल्याणाचेर विस्वास दवरता, सगळ्या जिवीत प्राण्यांक आनी पुराय संवसाराक एक कुटुंब मानता. हो परिसर म्हणल्यार 'माता भूममिः पुत्रो अहम् पृमिव्यिः' – संस्कृती जी पृथ्वीक आवय मानता. आनी जेन्ना भारत भूंय, आत्मनिर्भर जाता, तेन्ना

ती एका समृद्ध  संवसाराचे सुनिश्चिततेची खात्री दिता. भारताची उन्नती सदांच संवसाराचे उन्नतीचें एक अभिन्न आंग आसा.

भारताचें लक्ष आनी कार्यां हाचो प्रभाव वैश्वीक कल्याणाचेर जाता. जेन्ना भारत उकत्या मलनिस्सारणा सावन मुक्त जाला, ताचो प्रभाव संवसाराचे प्रतिमेचेर जाला. बारीक जोर (टीबी), कुपोशण, पोलिओ ह्या सारकिल्ल्या भारताच्या मोहिमेचो, प्रभाव संवसाराचेर जाला.

आंतरराष्ट्रीय सोलार युती ही भारताची ग्लोबल वॉर्मिंगा आड भारताची देणगी आसा. आंतरराष्ट्रीय योग दिसाचो फुडाकार म्हणल्यार तणाव उणो करूंक भारताची देणगी. भारतीय वखदांनी संवसारांतल्या विभिन्न भागांतल्या लोकांक जिणेची एक नवी आस्त दिल्या.

ह्या पावलांनी भारताक किर्त जोडून दिल्या आनी दरेकी भारतियाक ताचो अभिमान दिसता. संवसाराक विस्वास दिसपाक लागला की, भारत खूब बरें कार्य करूंक शकता, मनीसकुळाच्या कल्याणा खातीर कितलेशेंच बरें दिवंक शकता.

प्रस्न म्हणल्यार - कसो?

ह्या प्रस्नाची जाप म्हणल्यार – 130 कोटी नागरिकांचो आत्मनिर्भर भारताचो एकत्रीत संकल्प.

इश्टांनो,
आमचे कडेन शेंकड्यांचो अभिमानास्पद असो इतिहास आसा. जेन्ना भारत समृद्ध आसलो, तेन्ना ताका भांगराची खण म्हणटाले, तो समृद्ध आसलो, तेन्ना तो सदांच संवसाराच्या कल्याणाच्या मार्गानूच फुडें फुडें वचत रावलो.

उपरांत काळ बदल्लो, देश गुलामगिरीच्या चपक्यांत सांपडलो, आमी विकासा पासून पयस उरले. आयज, जेन्ना भारत जलद गतीन उन्नतीचे पांवड्यो चडत आसतानाय, आजून वैश्वीक कल्याणाच्या उद्दिश्टां खातीर वचनबद्ध आसा. उगडास करात, ह्या शेंकड्याचे सुरवातीक Y2K

चें संकश्ट.भारतांतल्या तंत्रगिन्यानाच्या विशेशज्ञांनी संवसाराक ह्या संकटांतल्यान भायर काडलो.आयज आमचे कडेन संसाधनां आसात, आमचे कडेन सामर्थ्य आसा आनी आमचे कडेन संवसारांतली उत्कृश्ठ अशी प्रतिभा आसा.
आमी बरे उत्पाद तयार करतले, आमची गुणवत्ता आनीकूय सुदारतले, पुरोवणी चैन चड आधुनीक करतले, आमी हें करूंक शकता आनी आमी हें निश्चितूच करतले.

इश्टांनो,
हांवे कच्छांतलो भूंयकांप अणभवला. सगळे कडेन अवशेशांचे ढीग पडिल्ले. सगळ्याची नाशाडी जाल्ली. कच्छ मरणाची चादर घेवन न्हिदिल्ले वरी दिसतालें. ते परिस्थितींत कोणेच चिंतूक नासलें की स्थिती बदलतली म्हूण. पूण, कच्छ उबें रावलें, कच्छान फुडें सरपाक सुरवात केली, कच्छ फुडें सरलें. ही भारतियांची हिंमत आनी दृढसंकल्प.
दृढसंकल्प केल्यार आमी ध्येया मेरेन पावतलेच आनी खंयचोच मार्ग कठीण असो आसचो ना. आनी आयज जंय इत्सा आसा थंय मार्ग आसा. तो म्हणल्यार आत्मनिर्भर भारत. आमचो एकत्रीत संकल्प प्रबळ आसा जाका लागून भारत आत्मनिर्भर जावंक शकता.

इश्टांनो, आत्मनिर्भर भारताची ही भव्य इमारत पांच खांब्यांचेर उबी आसतली.
**पयलो खांबो म्हणल्यार अर्थवेवस्था**, अर्थवेवस्था जी वृद्धिशील परिवर्तना परस खूब व्हडलें परिवर्तन घडयता

**दुसरो खांबो म्हणल्यार साधनसुविधा,** साधनसुविधा जी आधुनिक भारताची वळख जातली

**तिसरो खांबो म्हणल्यार** आमची प्रणाली. प्रणाली जी तंत्रगिन्याना वरवीं संचलीत आसा जी 21 व्या शेंकड्याचें सपन पुराय करूंक शकता;फाटल्या शेंकड्यांतल्या धोरणाचेर आदारीत नाशिल्ली प्रणाली.

**चवथो खांबो म्हणल्यार आमची जनसांख्यिकी आसा**. आमची व्हायब्रण्ट जनसांख्यिकी संवसारांतल्या सगळ्यांत व्हडले लोकशायेची ताकद आसा, आत्मनिर्भर भारता खातीर आमची उर्जा स्त्रोत आसा.

**आमचो पांचवो खांबो म्हणल्यार मागणी**. आमचे अर्थवेवस्थेंत मागणी आनी पुरोवणी चैनीचें चक्रण, ही एक शक्ती, ताचे पुराय क्षमते प्रमाणें वापरप आवश्यक आसा. देशांत मागणी वाडोवपा खातीर आनी मागणी पुराय करूंक आमचे पुरोवणीच्या चेनींतल्या दरेकी जाळवणदाराक सक्षक्त करपाची आवश्यकता आसा. आमी आमचे पुरोवणी चैनीक, आमचे पुरवण प्रणालीक मातयेच्या वासान आनी कामरांच्या घामान आमी घटमूट करतले.

**इश्टांनो,** कोरोना संकश्टांत, आयज हांव एका नव्या संकल्पा सयत एका विशिश्ट अर्थीक पॅकेजीची घोशणा करता. ही अर्थीक पॅकेज **'आत्मनिर्भर भारत अभियान'(सॅल्फ रिलायण्ट इंण्डिया कॅम्पेन)** त एक म्हत्वपूर्ण लिंक म्हूण काम करतली.

इश्टांनो, कोरोना संकश्टा कडेन संबंदीत सरकारान हालींच केल्ले अर्थीक घोशणेंत रिजर्व बँकेचे निर्णय आशिल्ले. आयज घोशीत केल्लें अर्थीक पॅकेज, जरी जोडली जाल्यार, ती सुमार 20 लाख रुपया मेरेन जातली. ही पॅकेज भारताच्या जीडीपीच्या सुमार 10 टक्के इतली आसा.ह्या देशांतल्या विभिन्न विभागां सयत आनी जे अर्थीक प्रणाली कडेन संबंदीत आशिल्ल्या लोकांक 20 लाख कोटी रुपयांचो आदार आनी बळगें मेळटलें. ही पॅकेज 2020 त देशाच्या विकासाच्या प्रवासाक नवो वेग आनी आत्मनिर्भर भारत अभियानाक नवी दिका दितली. आत्मनिर्भर भारताचो संकल्पाक सिद्ध करूंक, हे पॅकेजींत भूंय, श्रम, द्रवता आनी कायदो ह्या सगळयांचेर भर दिला.

ही अर्थीक पॅकेज आमचे कॉटेज उद्देग, गृहउद्देग, लघूउद्देग, ऍमऍसऍमई, हांचे खातीर आसा जे लाखांनी लोकांच्या उपजिविकेचें स्त्रोत आसा, जें आत्मनिर्भर भारता खातीर आमच्या संकल्पाची घटमूट बुन्याद आसा. ही अर्थीक पॅकेज देशांतल्या त्या कामगारां खातीर, शेतकाऱ्यां खातीर आसा जे खंयचेय परिस्थितींत, दरेकी मोसमांत देशवासियां खातीर दीस रात वावूरतात. ही पॅकेज देशांतल्या मध्यम वर्गीयां खातीर आसा जे प्रामाणिकपणान कर भरतात आनी देशाच्या विकासान योगदान दितात. ही अर्थीक पॅकेज भारतीय उद्देगा खातीर आसा जे, भारताचे अर्थीक क्षमतेक प्रोत्साहन दिवंक दृढ आसा. फाल्यां सावन, फुडल्या कांय दिसांनी, अर्थमंत्री तुमकां 'आत्मनिर्भर भारत अभियान' न प्रेरीत केल्ल्या ह्या अर्थीक पॅकेजी विशीं पुराय सविस्तार माहिती दितले.

**इश्टांनो,** आता भारताक आत्मनिर्भर भारत निर्माण करूंक अभूतपूर्व सुदारणीचे वचनबद्दताये सयत फुडें वचप आवश्यक आसा. फाटल्या 6 वर्सांनी केल्ल्या सुदारणांच्या परिणामांचो अणभव तुमीय घेतला, आयज ह्या संकश्टाच्या काळांत लेगीत; भारताची वेवस्था अदीकूच सक्षम

दिसता. नाजाल्यार, भारत सरकारान धाडिल्ले पयशे, थेट गरीब शेतकाऱ्यांच्या बोल्सांत पावतले असो विचार तरी कोणाक आयिल्लो! पूण तशें जालां. अशें घडलां जेन्ना सगळीं सरकारी कार्यालयां बंद आशिल्लीं; येरादारीचीं साधनां बंद आशिल्लीं. जनधन आधार-मोबायल—JAM च्या त्रिशक्ती कडेन संबंदीत ही फकत सुदारणां आशिल्लीं, जाचो परिणाम आमी हालींच पळयला. आतां नवी उंचाय दिवन, सुदारणेचो आवाठ विस्तृत करचो पडटलो. हो सुदार शेतां संबंदीत पुराय पुरोवणेची चैनींत आसतलो, जाका लागून शेतकार सशक्त जातलो आनी फुडारांत कोरोना सारकिल्या संकश्टांत लेगीत शेताचेर ताचो उणो प्रभाव पडटलो. हो सुदार रॅशनल टॅक्स प्रणाली, सादे आनी सरळ नेम आनी कायदे, बरी साधनसुविधा, समर्थ आनी सक्षम मानव संसाधन, आनी घटमूट वित्तीय प्रणाली निर्माणा खातीर आसतलो. हो सुदार वेपाराक प्रोत्साहीत करतले, गुंतवणुकेक आकर्शीत करतले आनी मेक इन इंण्डियाच्या संकल्पाक बळगें दितले.

**इश्टांनो,** आत्मनिर्भरता फकत आंतरीक शक्त आनी आत्म-विस्वासा वरवींच शक्य आसा. आत्मनिर्भरता लेगीत वैश्वीक पुरोवणी चैनींत खर सर्ती खातीर देशाक तयार करता. भारतान पुरोवणी चैनींत व्हडली भुमिका पार पाडप ही सध्याक काळाची गरज आसा. हें लक्षांत दवरून, अर्थीक पॅकेजींत कितलेश्योच तरतुदी केल्यात. हें आमच्या सगळया क्षेत्रांची कार्यक्षमताय वाडयतलें आनी गुणवत्ताय सुनिश्चीत करतलें.

**इश्टांनो,** हें संकश्ट इतलें व्हडलें आसा की, सगळयांत व्हडली वेवस्था हाल्ल्या. पूण, हेंय परिस्थितींत, देशांत गरीब भाव आनी भयणी ज्यो खास करून रस्त्यार विकूंक बसपी, फेरीवाले, कामगार, घरा घरांनी वचून काम करपी हांचो संकल्प आनी संयम पळयला, तांणी ह्या काळांत कितलिशीच तपस्या केल्या, कितलोसोच त्याग केलो. अशे कोण आसात जांकां तांची अनुपस्थिती जाणवली ना? आतां तांका खंबीर  करप हें आमचें कर्तव्य आसा. हें लक्षांत दवरून, मागीर ते गरीब, कामगार, स्थलांतरीत कामगार, पशुपालक, नुस्तेमार, संघटीत क्षेत्र आसूं वा असंघटीत क्षेत्र आसूं, दरेकी घटकाक अर्थीक पॅकेजींत कांय म्हत्वपूर्ण निर्णय जाहीर करतले.

**इश्टांनो,** कोरोना संकश्टान आमकां थळावें उत्पादन, थळावो (Local) बाजार, थळावी पुरोवणी चैन हाचें म्हत्व पटोवन दिलां. ह्या संकश्टाच्या काळार, थळाव्यांनीच आमची मागणी पुराय केली. थळाव्यांनीच आमकां वाटायले. थळावें फकत गरज न्हय तर, आमची जापसालदारकी आसा. वेळान आमकां शिकयला की थळाव्यांक आमी आमचो जिणेचो मंत्र म्हूण आपणावंक जाय. आयज जें वैश्वीक ब्रँण्ड लागता तें लेगीत केन्ना तरी अशेंच थळावें आशिल्लें.

पूण जेन्ना लोक तांकां वापरूंक लागले, तांचो प्रचार करूंक लागले, तांची ब्रॅण्डींग केली, ताचो तांकां अभिमान दिसूंक लागलो, तेन्ना ती उत्पादनां Local सावन Global जालीं. ताका लागून, आयज दरेकी भारतियाक Local खातीर Vocal जावचे पडटले. फकत  लोकल उत्पादन खरेदी करूंक न्हय तर, अभिमानान तांचो प्रचार करूंक जाय. म्हाका विस्वास आसा आमचो देश अशें करूंक शकतलो. तुमच्या प्रयत्नांनी दरेकी वेळार तुमचे खातीर स्रद्धा आनीक वाडूंक लागल्या. हांव गर्वान एक गजाल उगडास करतां, ती म्हणल्यार, जेन्ना हांवें तुमकां आनी देशाक खादी खरेदी करपाची विनवणी केल्ली आनी सांगिल्लें देशांतल्या हातमाग कामगारांक आदार दिवचो. आयज, थोड्याच काळा भितर खादी आनी हातमागा दोगांचीय मागणी आनी विक्री  रिकॉर्ड स्तरार पावल्या. इतलेंच न्हय, तुमी ताका व्हडलो ब्रॅण्ड केलो. हो फकत एक ल्हानसो प्रयत्न आशिल्लो, पूण ताचो परिणाम उर्बेवंत आशिल्लो.

**इश्टांनो,** विशेशज्ञ आनी विज्ञानीक सांगतात की कोरोना दीर्घकाळा खातीर आमचे जिणेचो भाग म्हूण रावतलो. तेच वांगडा, आमी अशेंय जावंक दिवूंक जायना की आमची जीण फकत कोरोना लागींच घुटमळत रावतली. आमी मास्क घालतले, दोन फुटांचें अंतर दवरतले आनी आमचें लक्ष्य साद्य करतले. हाका लागून, लॉकडावनाचो 4 थो टप्पो, लॉकडावन 4 पुराय तरेन नव्या नेमां सयत नव्या रुपाचो आसतलो. राज्यांतल्यान आमकां ज्यो सुचोवण्यो मेळटात, तांच्या आदारान लॉकडावन 4 संबंदीत माहिती तुमकां 18 मे चे पयली दितले. म्हाका विस्वास आसा नेमांचें पालन करीत, आमी कोरोनाक झूज दितले आनी फुडें सरतले.

**इश्टांनो,** आमचे संस्कृतींत सांगलां, ‘सर्वम आत्म वशं सुखम’ अर्थात, जें आमच्या हातांत आसा, जें आमच्या नियंत्रणांत आसा तेंच म्हणल्यार सूख. आत्मनिर्भरता आमकां सूख, धादोसकाय दिता, त्याच वांगडा सशक्तूय करता. 21 वो शेंकडो, भारताचो शेंकडो करपाची जापसालदारकी आत्मनिर्भर भारताच्या सोपूतांतल्यानूच पुराय जातली. हे जापसालदारकेक 130 कोटी नागरिकांच्या प्राणशक्तिंतल्यानूच उर्जा प्राप्त जातली. आत्मनिर्भर भारताचें हे यूग, दरेकी भारतिया खातीर नवें व्रत आसतले, नवें पर्व आसतलें. नवो संकल्प आनी दृढनिश्चयान आमी फुडें सरूंक जाय. आमचे आचार-विचार कर्तव्य भावनेन भरिल्ले आसले, पूर्णत्वाची कार्यसक्ती आसली, कौशल्याचें बांडवल आसलें जाल्यार आत्मनिर्भर भारत जावंक आमकां कोण आडावंक शकता? आमी भारताक आत्मनिर्भर करतलेच. ह्या संकल्पा सयत, ह्या विस्वासान हांव तुमकां परबीं भेटयता

**आत्मनिर्भर भारत**

**अन्न उद्देगांत सूक्ष्म ऍण्टरप्रायजीसाच्या उन्नती खातीर संद**

**वोकल फॉर लोकल**

प्रधानमंत्री सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देग येवजण (पीऍम ऍफऍमई येवजण)

अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय

भारत सरकार

**अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय**
**भारत सरकार**

2 लाख सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया ऍण्टरप्रायजीसाच्या उपचारीकरणा खातीर 10000 कोटी रुपयांचे येवजणेचो लाव सूक्ष्म अन्न उद्देग, ऍफपीओ / ऍसऍचजी / सहकारींक भांगराळी संद दिवपी आत्मनिर्भर भारत अभियाना अंतर्गत म्हत्वाचो उपक्रम.

भारताक आत्मनिर्भर करूंक 130 कोटी नागरिकांनी एकवटान थाराव घेतला. मुखा वयलो रस्तो लोकल (थळावो) आसा – थळावे उत्पादन, थळावे बाजार, थळावी पुरवण चैन. लोकल म्हणल्यार फकत एक गरज न्हय तर ती एक जापसालदारकी.

**नरेंद्र मोदी, प्रधानमंत्री**

**हरसिमरत कौर बादल**
अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्री

**रामेश्वर तेली**
अन्न प्रक्रिया उद्देग राज्य मंत्री

## 1. फाटभूंय

1.1. असंघटीत अन्न प्रक्रिया क्षेत्राचे सुमार 25 लाख युनिट, अन्न प्रक्रिया क्षेत्रांत 74% रोजगाराक योगदान दिता. हातूंतले सुमार 66% युनिट ग्रामीण वाठारांनी स्थीत आसात आनी तातूंतले सुमार 80% युनिट, ग्रामीण घराब्यांच्या उदरनिर्वाहाक सहायता दिवपी आनी शारी वाठारांनी तांचें स्थलांतर उणें करपी कुटुंबीक आदारीत एॅण्टरप्रायजीस आसात. हे युनिट सूक्ष्म एॅण्टरप्रायजीसांच्या वर्गीकरणांत येतात.

1.2 ह्या युनिटां मुखार जायतीं आव्हानां येतात जाका लागून तांची कामगिरी आनी विकास मर्यादीत उरता. ह्या आव्हानांनी आधुनीक तंत्रगिन्यान आनी माक्नां, प्रशिक्षण मेळोवपाचो उणाव, संस्थात्मक उदारी मेळोवपाचो उणाव, उत्पादाच्या दर्ज्याचेर नियंत्रण दवरपा विशीं मुळावी जागृताय नासप, आनी ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी कुशळटायेचो उणाव आनी हेर गजालींचो आसपाव आसा. ते खातीर, खूब क्षमता आसून लेगीत अन्न प्रक्रिया क्षेत्र मूल्यवर्धन आनी उत्पन्नाचे बाबतींत उणें योगदान दिता.

## 2. उद्दिश्टां

2.1 असंघटीत सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया एॅण्टरप्रायजीसाचें योगदान आनी तांचे कामगिरीचेर परिणाम करपी आव्हानां मतींत घेवन, अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालयान (एॅमओएॅफपीआय) पॅकेज सहायता आनी सेवा वरवीं “प्रधानमंत्री सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया एॅण्टरप्रायजीस उपचारीकरण येवजण – पीएॅम एॅफएॅमई येवजण” चालीक लायल्या. हे येवजणेचीं उद्दिश्टां सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात –

(i) तंत्रीक गिन्यान, कुशळटाय प्रशिक्षण आनी निधी सहायता सेवां वरवीं उद्देजकांची (एॅण्टरप्रेनर) क्षमता वाडोवप;

(ii) तंत्रगिन्यानाचो दर्जो सुदारूंक सद्याच्या सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देगांक उदारी खातीर वाढीव प्रवेश;

(iii) सूक्ष्म एॅण्टरप्रायजीसांक सामान्य सेवांचो लाव घेवंक मेळचो म्हूण शेतकरी उत्पादन संघटणा (एॅफपीओ), आप मजत गट (एॅसएॅचजी), उत्पादकांच्यो सहकारी आनी सहकारी संस्थांक तांचें पुराय मूल्य चेना सयत सहायता दिवप.

| | |
|---|---|
| 25 Lakh unorganised food processing units contribute to | असंघटीत अन्न प्रक्रिया क्षेत्राचें 25 लाख युनिट |
| 74% of employment in food processing sector | अन्न प्रक्रिया क्षेत्रांत 74% रोजगाराक योगदान दिता |

(iv) नियामक संरचना आनी अनुपालना अंतर्गत सद्याच्या ऍण्टरप्रायजीजांच्या नोंदणीकरणा खातीर उपचारीक संरचनेंत रुपांतराक सहायता दिवप;

(v) ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी बळिश्ट करून संघटीत पुरवण चेनांत आसपावणी करप;

**3. राज्यांचो / संघ प्रदेशांचो आसपाव आनी निधीचें स्वरूप**

3.1 ही एक अखील भारतीय केंद्र सरकार पुरस्कृत येवजण आसा जातूंत 2020-21 ते 2024-25 मेरेन 5 वर्सां खातीर 2,00,000 ऍण्टरप्रायजीसांचो आसपाव करूंक 10,000 कोटी रुपयांचो परिव्यय आसा. हे येवजणे अंतर्गतच्या खर्चाचो वांटो, केंद्र आनी राज्य सरकारां मदीं 60:40, उत्तर पूर्व आनी हिमालयी राज्यां मदीं 90:10, विधीमंडळ आशिल्ल्या संघ प्रदेशां मदीं 60:40 अशा प्रमाणान आसतलो आनी हेर संघ प्रदेशां खातीर केंद्र सरकाराचो 100% वांटो आसतलो.

3.2 2020-21 ह्या पयल्या वर्साचो खर्च, केंद्र वा राज्यांनी केल्यार ताचो 100% खर्च केंद्र सरकार करतलें. पयल्या वर्सा केल्लो खर्च फुडल्या वर्सांक राज्यांक हस्तांतरीत जावपी निधीचे वांटणी रकमेंत सामान्य रितीन समयोजीत करतले.

| | |
|---|---|
| Fund Sharing Pattern Between Center & State | केंद्र आनी राज्या मदीं निधी वांटणी |
| State | राज्य |
| Center | केंद्र |
| 40 | 40 |
| 10 | 10 |
| 60 | 60 |
| 90 | 90 |
| 100 | 100 |
| States & UTs with legislature | विधीमंडळ आशिल्लीं राज्यां आनी संघ प्रदेश |
| Himalayan & North Eastern States | हिमालयी आनी उत्तर पूर्व राज्यां |
| UTs without legislature | विधीमंडळ नाशिल्ले संघ प्रदेश |

3.3 येवजणे अंतर्गतचो निधी मान्य प्रकल्प अंमलबजावणी आराखड्याच्या (पीआयपी) आदाराचेर राज्यांक दितले.

**4. एक जिल्लो-एक उत्पाद दृश्टीकोन**

4.1 उपकरणांची अधिप्राप्ती करूंक, सामान्य सेवा मेळोवंक आनी उत्पादांचे बाजारणी संदर्भांत मोट्या प्रमाणांत लाव मेळोवंक हे येवजणेचो एक जिल्लो एक उत्पाद (ओडीओपी) दृश्टीकोन आसतलो. एक जिल्लो एक उत्पाद दृश्टीकोन मान चेनाचे उदरगती खातीर आनी सहायता दिवपी साधनसुविधा एकरूप करपा खातीर संरचना दितलो. एका जिल्ल्यांतल्या एका उत्पादाक एका परस चड समूह आसूं येता. एक समूह एका जिल्ल्या भायरूय आसूंक शकता. इबाडपी वस्तूंचेर येवजणेचो भर मतींत घेवन राज्यां एका जिल्ल्याचो खाद्य पदार्थ सोदून काडूंक शकता. ओडीओपी अंतर्गत इबाडपी शेती-उत्पाद, धान्ययुक्त उत्पाद वा जिल्ल्यांत मोट्या प्रमाणांत उत्पन्न जावपी खाद्य पदार्थ आनी ताच्या समवर्गी क्षेत्रांचो आसपाव आसा. आंबो, बटाट, लिची, टमाट, साबुदाणो, किन्नू, भुजिया, पेठा, पापड, लोणचें, बाजरीयुक्त उत्पाद, नुस्तें वेवसाय, कुकडांपालन, मांस तशेंच जनावराची खावड अशा उत्पादांचो दृश्टांतदर्शक सुचींत आसपाव आसा. सद्याच्या वैयक्तीक सूक्ष्म युनिटांक सहायता दिवपा संदर्भांत ओडीओपी

दृश्टीकोना अंतर्गत उत्पादन करप्यांक पसंती दितले. पूण, हेर उत्पाद उत्पन्न करपी युनिटांकूय सहायता दितले. गटांचे बाबतींत, खास करून, ओडीओपी दृश्टीकोना अंतर्गत उत्पादांत आशिल्ल्यांक सहायता दितले. अशा जिल्ल्यांनी हेर उत्पादांची प्रक्रिया करपी गटांक, ह्या उत्पादांची आदींच प्रक्रिया केल्ल्यांक सहायता दितले आनी तंत्रीक, अर्थीक आनी उद्देजकताय (ऍण्टरप्रॅनोरियल) बळा खातीर सहायता दितले. ओडीओपी दृश्टीकोना अंतर्गतच्या उत्पादांकूच सामान्य साधनसुविधा आनी बाजारणी आनी ब्रॅण्डींगाक सहायता मेळटली. राज्य वा प्रादेशीक पांवड्यार बाजारणी आनी ब्रॅण्डींगाक सहायता दिवपा बाबतींत, जिल्ल्यांतल्या सामान्य उत्पादाक जो ओडीओपी उत्पाद ना, ताचो आसपाव करूं येता.

4.2 फाटलें आनी फुडलें संयोजन बळिश्ट करप, सामान्य सुविधा, उद्भवन केंद्र, प्रशिक्षण, आर ऍण्ड डी, बाजारणी आनी ब्रॅण्डींग हांची तरतूद करूंक येवजण सहायता दितली आनी हांची तरतूद मुळाव्या स्वरुपांत ओडीओपी उत्पादां खातीर आसतली. मुखार, हो दृश्टीकोन सरकाराच्या सद्याच्या प्रोत्साहक यत्नांक धरून आसा आनी ताका ताचो लाव जातलो देखीक कृषी निर्गत धोरणा अंतर्गत कृषी पीक समुहाची उदरगत, कृषी मंत्रालय आनी ग्रामीण उदरगत मंत्रालयाच्या राष्ट्रीय ग्रामीण शारी अभियाना वरवीं समूह दृश्टीकोन.

## 5. अन्न प्रक्रिया युनिटांक सहायता

अन्न प्रक्रिया युनिटांक सकयल दिल्ल्या गजालीं खातीर सहायता दितले:

(i) सद्याच्या असंघटीत अन्न प्रक्रिया युनिटांक दर्जो सुदारूंक चडावत 10 लाख रुपया मेरेन अनुदान सहायता दिवन प्रकल्प खर्चाचे 35% उदारी संबंदीत अनुदान;

(ii) ऍसऍचजी/ऍफपीओ/सहकाऱ्यांक विहीत चडावत मर्यादी सयत भांडवली खर्चा खातीर प्रकल्प खर्चाचे 35% उदारी संबंदीत अनुदान;

(iii) कार्यरत भांडवल म्हणून अन्न प्रक्रियेंत आशिल्ल्यांक दरेका वांगड्याक 40,000 रुपया मुदल भांडवल;

(iv) सामान्य साधनसुविधे खातीर विहीत चडावत मर्यादी सयत प्रकल्प खर्चाचे 35% उदारी संबंदीत अनुदान;

(v) बाजारणी आनी ब्रॅण्डींग खातीर 50% खर्चा मेरेन विहीत चडावत मर्यादे मेरेन सहायता.

## 6. प्रक्रिया युनिटांचो विस्तार

6.1 वैयक्तीक वर्गवारी: वैयक्तीक सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया युनिटांक विस्तार / तंत्रीक विस्तारा खातीर दरेका युनिटाचेर 10 लाख रुपयाची उंचेली मर्यादा घालून पात्र प्रकल्प खर्चाच्या 35% उदारी संबंदीत भांडवली सब्सिडी दितले. लाभार्थ्याचें योगदान उण्यांत उणें 10% आसूंक जाय आनी उरिल्ली रक्कम बँकेंतल्यान घेतिल्लें रीण आसूंक जाय.

### 6.1.1 पात्रतायेचो निकश:

(i) ऍण्टरप्रायज मालक हक्का सयत वैयक्तीक / भागीदारी फर्म;

(ii) सद्याची सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया युनिटाचें सर्वेक्षण वा संसाधनी व्यक्ती वरवीं सत्यापन जावंक जाय;

(iii) अर्जदार 18 वर्सां परस चड पिरायेचो आसूंक जाय आनी उण्यांत उणी आठवी पास शिक्षणीक गुणवत्ता आसूंक जाय;

(iv) एका घराब्यांतल्यान फकत एकूच व्यक्ती अर्थीक सहाय्य मेळोवंक पात्र आसा. ह्या उद्देशा खातीर “घराबो” हातूंत आपूण स्वता, घोव वा बायल आनी भुरगीं हांचो आसपाव आसतलो.

### 6.1.2 विस्तारीकरणा खातीर अर्ज करूंक कार्यपद्धत:

6.1.2.1 येवजणे अंतर्गत लाव घेवंक इत्सूक आशिल्ल्या युनिटां कडल्यान चालू आदाराचेर जिल्लो स्तराचेर अर्ज मागयतले. येवजणे अंतर्गत सहाय्य मागूंक सोदपी सद्याच्या अन्न प्रक्रिया युनिटांनी ऍफऍमई पोर्टलाचेर अर्ज करूंक जाय. बँकांक शिफारस करूंक अर्जांची लघू वळेरी खातीर राज्यां योग्य स्तर थारायतलीं.

### 6.1.3 अनुदाना खातीर बँकें कडेन कार्यपद्धत:

6.1.3.1 राष्ट्रीय स्तराचेर, बँकेक सब्सिडीचें वितरण करूंक आनी लाभार्थ्यांक रीण दिवपी बँके कडेन संपर्क दवरूंक नोडल बँकेची नेमणूक करतले. रीण मंजूर करपी बँक लाभार्थ्याच्या नांवान एक सम-खातें उगडटली. राज्य आनी केंद्र सरकार, रीण दिवपी बँकेचे शाखेंत लाभार्थ्याच्या ह्या खात्यांत केंद्र आनी राज्य सरकाराचें 60:40 अशा प्रमाणान अनुदान तत्वाचेर जमा करतले. जरी वितरणाच्या तीन वर्सांच्या कालावधी उपरांत, रिणाच्या निमाण्या वांट्याचो लाव घेवंक इत्सूक युनिट, लाभार्थी खातें आजुनूय मानक आसा आनी युनिट कार्यरत आसा, जाल्यार ही रक्कम लाभार्थ्याच्या बँक खात्यांत समायोजीत करतले. गटांक आनी सामान्य साधनसुविधे खातीर अनुवादाचें वितरण हेंच तत्व पाळून तांच्या बँक खात्यांत जमा करतले.

| | |
|---|---|
| Units interested in availing the benefits | लाव मेळोवंक इत्सूक आशिल्ले युनिट |
| Assistance from District Resource Persons | जिल्लो संसाधनी व्यक्तीं कडल्यान सहायता |
| Sending the Application | अर्ज धाडप |
| Approval from District Level Committee or State Nodal Agency | जिल्लो स्तरीय समिती वा राज्य नोडल एजन्सी कडल्यान मान्यताय |
| Recommendation to the banks | बँकांक शिफारशी |

**6.2 गटाची वर्गवारी:** येवजण गटांक समुहांनी सहायता दितले देखीक ऍफपीओ/ऍसऍचजी/उत्पादन सहकारी आनी तांची पुराय मुल्य चैन. ऍसऍचजी / ऍफपीओ / उत्पादन सहकारी हांकां सकयल दिल्ली सहायता मेळटली:-

(i) विहीत चडावत मर्यादी सयत भांडवली गुंतवणुके खातीर उदारी संयोजना सयत 35% चेर अनुदान;

(ii) प्रशिक्षण सहायता;

(iii) सामान्य ब्रॅण्ड विकसीत करूंक ओडीओपी अंतर्गत उत्पादांक बाजारणी आनी ब्रॅण्डींग खातीर सहायता.

### 6.2.1 पात्रतायेचो निकश:

(i) ओडीओपी उत्पन्नाचेर प्रक्रिया करपाच्या कामांत उण्यांत उणे तीन वर्सां आसूंक जाय;

(ii) ऍफपीओ / सहकाऱ्यांचे बाबतींत, तांची उण्यांत उणी 1 कोटी रुपया मेरेन उलाढाल आसूंक जाय आनी प्रस्तावीत प्रकल्पाचो खर्च सद्याचे उलाढाली परस चड आसूंक जायना;

(iii) ऍसऍचजी / सहकारी / ऍफपीओ हांचे कडेन प्रकल्प खर्चाचो 10% खर्च करूंक फावो तितलीं अंतर्गत साधनां आनी कार्यरत भांडवली खातीर समास रक्कम आसूंक जाय.

### 6.3. ऍसऍचजी हांकां मुदल भांडवल:

अन्न प्रक्रियेंत आशिल्ल्या ऍसऍचजीच्या दरेकी वांगड्याक कार्यरत भांडवल आनी ल्हान उपकरणां विकतीं घेवपा खातीर येवजण 40,000 रुपया मुदल भांडवलाची तरतूद करता. अनुदानाच्या रुपान मुदल भांडवल ऍसऍचजी हांच्या महासंघ स्तराचेर दितले, जे ऍसऍचजी वरवीं रीण म्हणून वांगड्यांक दितले.

### 6.3.2 पात्रतायेचो निकश:

6.3.2.1 मुदल भांडवला खातीर, अन्न प्रक्रियेंत सद्या आशिल्लेच ऍसऍजजी वांगडी पात्र थारतले. ऍसऍचजी वांगड्यान ही रक्कम कार्यरत भांडवल तशेंच ल्हान उपकरणांचे खरेदी खातीर करूंक बांदील आसूंक जाय आनी हे संबंदी ऍसऍचजी आनी ऍसऍचजी महासंघा कडेन बांदिलकी दिवंक जाय.

## 7. सामान्य साधनसुविधेची निर्मिणी

7.1 ऍफपीओ / ऍसऍचजी / उत्पादक सहकारी / राज्य एजन्सी वा खासगी ऍण्टरप्रायज हांकां सामान्य प्रक्रिया सुविधा, उद्भवन केंद्र, प्रयोगशाळा, गुदांव, शीतागार आनी हेरां सयत सामान्य साधनसुविधा निर्मिणी खातीर सहाय्य मेळटलो. हे वर्गवारी अंतर्गत प्रकल्पाची पात्रताय शेतकारांक आनी उद्देगांक लाव, वेव्हार्यताय अंतर, खासगी गुंतवणुकेची अनुपस्थिती, मान

चेनाची म्हत्वपुर्णताय आनी हेरांच्या आदाराचेर थारायतले. विहीत चडावत मर्यादी सयत 35% अशा आदाराचेर उदारी संबंदीत अनुदान मेळटलें.

## 8. ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी सहायता

8.1 गुणवत्ता नियंत्रण, मानकीकरण आनी उपभोक्ता किरकोळ विक्री खातीर अन्न सुरक्षा चौखट पाळपाचे तरतुदी सयत सामान्य पॅकेजींग आनी ब्रॅण्डींग विकसीत करूंक समूह दृश्टीकोन पाळपी ऍफपीओ / ऍसऍचजी / सहकारी वा सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया ऍण्टरप्रायजीसाच्या ऍसपीवीक येवजणे अंतर्गत बाजारणी आनी ब्रॅण्डींग सहायता दितले.

8.2 बाजारणी आनी ब्रॅण्डींग खातीर उण्यांत उणी मात्रा आवश्यक आसा जी उत्पादकांक मोट्या प्रमाणांत एकठांय हाडूंक ऍफपीओ / ऍसऍचजी / सहकारी हांच्या सक्रीय सहभागा वरवीं करूं येता. प्रकल्पाचे आवश्यक तपशील दाखोवपी तांणी तयार केल्ल्या डीपीआराच्या आदाराचेर ह्या संघटणांक सहायता मेळटली. ब्रॅण्डींग आनी बाजारणीच्या प्रस्तावां खातीर डीपीआर तयार करूंक राज्य नोडल एजन्सीक 5 लाख रुपयांची सहायता मेळटली.

8.3 ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी खातीर विहीत चडावत मर्यादी सयत वट्ट खर्चाचे 50% मर्यादी मेरेन सहायता मेळटली. ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी खातीर राज्यां वा राष्ट्रीय स्तराची संस्था वा संघटणा वा भागीदारी संस्थां कडल्यान आयिल्ल्या प्रस्तावांक राष्ट्रीय स्तराचेर वर्टिकल प्रॉडक्टां खातीर सहायता दितले. येवजणे अंतर्गत किरकोळ दुकानां उकतीं करूंक सहायता दिवचे नात.

### 8.4 सहायते खातीर अर्ज करूंक कार्यपद्धत:

8.4.1 येवजणे अंतर्गत ब्रॅण्डींग आनी बाजारणी खातीर सहायता मेळोवंक अर्ज करूंक इत्सूक आशिल्ल्या ऍफपीओ / ऍसऍचजी / सहकारी वा ऍसपीवी हांचे बाबतींत, डीपीआर तयार करून राज्य नोडल एजन्सीक (ऍसऍनए) सुपूर्द करूंक जाय. ऍसऍनए प्रस्तावाचें मुल्यांकन करतली आनी राज्य स्तरीय मान्यताय समितीचे (ऍसऍलएसी) शिफारशीच्या आदाराचेर ऍमओऍफपीआय कडल्यान मान्यताय मागतली. त्या उपरांत, रिणाचे मंजुरी खातीर बँकेक

प्रस्तावाची शिफारस करतले. सामान्य साधनसुविधेचे निर्मिणी खातीर सहायता मागूंक अर्ज करतना, हीच कार्यपद्धत पाळूंक जाय.

## 9. क्षमता निर्मिणी आनी संशोधन

9.1 तंत्रीक दर्जो सुदारणेंत आनी सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया ऍण्टरप्रायजीसांचे उपचारीकरणांत प्रशिक्षण हो म्हत्वपूर्ण घटक आसा. अनुदान मेळोवपी सगळे व्यक्ती आनी संस्थांचे वांगडी आपले कुशळटायेचो दर्जो सुदारूंक प्रशिक्षण घेतलें. ते भायर, जिल्ल्यांत ओडीओपी उत्पादाचें उत्पन्न करपी सद्याचे वैयक्तीक युनिटांक आनी गटांक, जरी तांकां उदारी संबंदीत अनुदाना वरवीं सहायता दिवंक ना जाल्यार लेगीत, प्रशिक्षण सहायता दितले. बाजारणी आनी ब्रॅण्डींगा खातीर सहायतेचे भाग आशिल्ले वा अशा नॅटवर्कांत सामील जावपाची क्षमता आशिल्ल्या युनिटांक प्रशिक्षण सहायता दितले.

| | |
|---|---|
| **NIFTEM and IIFPT at National Level** | राष्ट्रीय स्तराचेर ऍनआयऍफटीईऍम आनी आयआयऍफपीटी |
| **Training to Trainers** | प्रशिक्षकांक प्रशिक्षण |
| **State Level Technological institutions** | राज्य स्तरीय तंत्रिकी संस्था |
| **Training to RPs** | संसाधन व्यक्तींक प्रशिक्षण |
| **Cluster Level** | समूह स्तर |
| **Training to Enterprise** | ऍण्टरप्रायजांक प्रशिक्षण |
| **Training to Groups** | गटांक प्रशिक्षण |

9.2 नॅशनल इन्स्टिट्यूट फॉर फूड टॅकनॉलॉजी ऍण्टरप्रॅनरशीप ऍण्ड मॅनेजमॅण्ट (ऍनआयऍफटीईऍम) आनी इण्डियन इन्स्टिट्यूट ऑफ फूड प्रॉसॅसिंग टॅकनॉलॉजी (आयआयऍफपीटी), ह्या ऍमओऍफपीआय अंतर्गतच्या दोन राष्ट्रीय स्तरीय अन्न प्रक्रिया तंत्रगिन्यान संस्थांक, क्षमता निर्मिणी आनी संशोधनाचें फुडारपण करपाची जापसालदारकी दिल्या. राज्य स्तराचेर, क्षमता निर्मिणी आनी प्रशिक्षण घेवंक राज्य सरकारान वेंचिल्ल्या अन्न प्रक्रिया तंत्रगिन्यानांतल्या राज्य स्तरीय तंत्रगिन्यान संस्थां कडेन ते भागीदारी करतले.

9.3 ऍण्टरप्रॅनरशीप उदरगत, ऍण्टरप्रायज कार्यान्वयनाचीं आवश्यक कार्यां, बूक किपींग, नोंदणीकरण, ऍफऍसऍसएआय (FSSAI) मानक, उद्योग आधार, जीऍसटी नोंदणीकरण, सामान्य नितळसाण, पॅकेजींग, बाजारणी आनी हेर विशयांचेर वैयक्तीक आनी गट लाभार्थ्यांक प्रशिक्षण भर दितले. ओडीओपी आदर्शाचेर आनी वर्टिकल फोकस प्रॉडक्ट्सांचेर रचिल्लें विशेश प्रशिक्षण ऍण्टरप्रॅनर्साच्या कामाचे सुवाती लागीं घडोवन हाडटले. ग्रामीण आप-रोजगार प्रशिक्षण संस्था (आरऍसईटीआय) आनी जिल्लो स्तराचेर हेर संस्थांच्या सद्याचे साधनसुविधांचो वापर प्रशिक्षण दिवंक करतले.

## 10. भागीदारी संस्था

10.1 येवजण अनुसुचीत जात (ऍससी) / अनुसुचीत जमाती (ऍसटी), बायलां आनी म्हत्वपूर्ण जिल्ले आनी ऍफपीओ, ऍसऍचजी आनी उत्पादक सहकाऱ्यांचेर खास भर दितात. टीआरआयऍफईडी, राष्ट्रीय ऍससी उदरगत वित्त महामंडळ, ऍनसीडीसी, लघू शेतकार कृषी उद्देग संघ (ऍसऍफएसी) आनी ग्रामीण उदरगत मंत्रालया अंतर्गतचें राष्ट्रीय ग्रामीण उदरनिर्वाह अभियान ह्या वाठारांनी काम करता. वयर उल्लेखीत संस्था, अनुक्रमान ऍसटी, ऍससी, सहकारी, ऍफपीओ आनी ऍसऍचजी हांचे युनिट / समूह सोदून काडून आपल्या वावराचें अभिसरण करूंक शकता आनी राज्याच्या पीआयपी हातूंत ताचो आसपाव करूंक शकता.

## 11. अंमलबजावणी आनी देखरेख यंत्रणा

11.1 येवजणेची परिणामकारक रितीन अंमलबजावणी आनी देखरेख करूंक, येवजणेची, केंद्र, राज्य आनी जिल्लो स्तराचेर सकयल दिल्ली वेवस्थापन रचना आसतली:




### 11.2 आंतर-मंत्रालयीन उच्चाधिकार समिती (आयऍमईसी):

येवजणेची अंमलबजावणी, विकासाची देखरेख आनी ताचे कामगिरीचो फेरनियाळ घेवंक सामान्य अधिक्षण, मार्गदर्शन आनी संपूर्ण दिशा दाखोवपा खातीर केंद्र स्तराचेर आयऍमईसी हाचें फुडारपण अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय (ऍमओऍफपीआय) करतलें. आयऍमईसी येवजणेचीं मार्गदर्शक तत्वां, येवजणे अंतर्गत राज्याचो / संघ प्रदेशाचो प्रकल्प अंमलबजावणी आराखडो (पीआयपी) आनी ऍसऍचजी / ऍफपीओ / सहकारी हांणी भांडवली गुंतवणुकेचे साबार प्रकल्प, सामान्य साधनसुविधा आनी 10 लाख रुपया वयल्या प्रकल्पाचे बाजारणी आनी ब्रॅण्डींगाचे प्रकल्प मान्य करतले. प्रशासकी कार्यां घेवंक आनी कार्यान्वयन स्तराचेर येवजणेची नियमीत देखरेख करूंक ऍमओऍफपीआय हातूंत प्रकल्प कार्यकारिणी समिती (पीईसी) घडयतले. सचिवालयीन, प्रबंधकीय आनी अंमलबजावणी सहायता दिवंक ऍमओऍफपीआय हाका सहकार्य दिवंक राष्ट्रीय कार्यावळ वेवस्थापन युनिट (ऍनपीऍमयू) स्थापन करतले.

11.3 राज्य स्तर: येवजणेचे अंमलबजावणीची देखरेख करूंक राज्य सरकारां, नोडल खातें आनी राज्य नोडल अधिकाऱ्याची नेमणूक करतलीं. राज्य पीएँमयू च्या सहकार्यान राज्य नोडल एजन्सी (ऍसऍनए) येवजण चालीक लायतली. मुख्य सचिवांच्या मुखेलपणा खालची राज्य स्तरीय मान्यताय समिती येवजणेचे अंमलबजावणीची देखरेख करतली. येवजणेचे अंमलबजावणी संदर्भांतल्या वेगवेगळ्या वावरांचेर 10 लाख रुपया मेरेनचो खंर्च समिती मंजूर करतली. जिल्लोधिकाऱ्याच्या मुखेलपणा अंतर्गत जिल्लो स्तरीय समिती (डीऍलसी) स्थापन करतले.

11.5 लाभार्थ्यांक हॅण्डहोल्डींग दिवंक ऍसऍनए जिल्लो संसाधनी व्यक्ती (डीआरपी) नेमतले. डीपीआर तयार करप, बँक रीण घेवप तशेंच ऍफऍसऍसएआय अन्न मानक, उद्योग आधार, जीऍसटी आनी हेरां सयत आवश्यक नोंदणी मेळोवंक सहायता आनी परवाने मेळोवंक हॅण्डहोल्डींग सपोर्ट दितले.

## 12. अभ्यास आनी अहवाल

12.1 राज्य सरकारांनी सकयल दिल्लें अभ्यास करूंक जाय:

**(i) आधारभूत मोलावणी:** ओडीओपी सोदून काडूंक आधारभूत अभ्यास करूंक जाय. हें अभ्यास 31 जुलय 2020 मेरेन दरेकी राज्यांत पुराय जावंक जाय. ह्या अभ्यासा खातीर, 2.5 – 10.0 लाख रुपया राज्यांक दितले.

**(ii) राज्य स्तरीय विस्तार नियोजन (ऍसऍलयूपी):**

ओडीओपी हाचेर निर्णय जाल्या उपरांत, जिल्ल्यांत त्या उत्पादाची प्रक्रिया हाताळपी युनिटांचो आंकडो, फार्म स्तरीय कार्यान्वयन, वट्ट मात्रा आनी उत्पन्नाचो मान, तंत्रगिन्यान, फार्म गेट स्तरीय प्रक्रिया, सांठवण, गुदांव आनी हेर गजालींची माहिती दिवपी सविस्तर अभ्यास राज्यांत जावंक जाय. हें अभ्यास 31 डिसेंबर 2020 मेरेन पुराय जावंक जाय. ह्या अभ्यासा खातीर 25.0 – 75.0 लाख रुपया राज्यांक दितले.

## 13. सविस्तर मार्गदर्शक तत्वां

येवजणेचीं सविस्तर मार्गदर्शक तत्वां mofpi.nic.in ह्या मंत्रालयाच्या संकेतथळाचेर पळोवं येतात.

**अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय**
**भारत सरकार**